नमन

पोकू काशिनाथ नायक

1187
Dr.DEV
KAS

नमन

पोकू काशिनाथ नायक

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
Acc. No. 1373

नमन
(एकांकी)

पोकू काशिनाथ नायक

प्रकाशन क्र.: ४५
© दिपा पोकू नायक

पयली उजवाडावणी : २००४

उजवाडावपी:
मिलींद कमलाकर म्हाळशी
ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,
श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय

छापपी:
नवादित्य पॅकेजिंग्स्
माशेल, फोंडें, गोंय

अक्षर जुळणी :
दीपा कम्प्युटर ग्राफिक्स,
माटववाडो - बिट्ठोण, गोंय

मुखचित्र : अमोल पागी

मोल : ७० /- रुपया

Naman
(One Act Play)

Poku Kashinath Naik

Publication No. 45
© Deepa Poku Naik

A, KAS P04

First Publication : 2004

Publisher :
Milind Kamlakar Mhalshi
Om Shri Datta Padmja Prakashan
Shristhal , Canacona, Goa.

Printers :
Navaditya Packaging,
Marcela, Ponda, Goa.

Typesetting :
Deepa Computer Graphics,
Matav-wado, Britona, Goa

Cover Page : Amol Pagi

Price : Rs. 70/-

1187
Dr. Dev
KAS

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे " पयलो चंवर "
अनुदान येवजणे खाला छापला.

जिणेतल्या दरेक मोडणार
म्हाका फाटबळ दिवपी म्हजो इश्ट
दिलीप शिवराम नायक
हाका
मायेमोगान हें 'नमन'
म्हजी भेटवण.

–एकांकीकार

P. K. एक नाटककार केन्ना?

हांव पेशान शिक्षक. ताचेभायर जर हांव आनी कितेंय आसत जाल्यार तो म्हळ्यार एक सादो नाट्य कलाकार. एक दिग्दर्शक वा नट म्हणून हेरांनी बरयिल्ल्या नाटिकांक/नाटकांक हांवें जाता तितलो न्याय दिवपाचो प्रयत्न फाटल्या ३५ वर्सांत केला. पूण ह्या पस्तीस वर्सांत म्हणात वा म्हज्या पुराय जिवितांत, हांवें नाटक तर सोडूच, एक सादी एकांकिका वा हेर कसलेच साहित्याचे प्रकार हाताळूंक नात. देखून साहित्य रचतना येवपी अडचणींची म्हाका कसलीच कल्पना ना. तरीय पूण हांव हे एकांकिका संग्रहाक म्हजीं प्रस्तावनेचीं दोन उतरां तुमचे मुखार दवरतां.

तुमकां अजाप जातलें न्हय? ताचें अशें जालें : पोकू काशिनाथ नायक हांणी एक दीस म्हज्या हातांत आपलो एकांकिका संग्रह दिलो आनी म्हळें, 'Sir, हें म्हजें पयलें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या पालवान छापून येता. ताका तुमी प्रस्तावना बरोवची अशी म्हजी इत्सा आसा. जितल्या विस्वासान ताणें हें सांगलें तितल्याच विस्वासान हांवेंय तें मान्य केलें. तें मान्य करतना हांवे इतलेंच थारायलें कीं कसलोच मीठमसालो लायनासतना ताचे आनी म्हजे पयले मुलाखतीसावन आतांमेरेन हांवें ताचेबद्दल कितें अणभवला तेंच कथन करतलों देखून ही प्रस्तावना.

१९८९ वर्सा, शिक्षकी पेशांत आपल्याक वावरुपाचें आसा म्हणून मुलाखतीक आयिल्ल्या हेर उमेदवारां वांगडा पोकू काशिनाथ नायक ह्या मनशाचीय तेदेवेळार मुख्याध्यापक म्हणून हांवें मुलाखत घेतली आनी म्हाका कितें दिसलें आनी चड भावलें जाल्यार ताची उमेद आनी तळमळ. फावो त्यो डिग्र्यो आशिल्ल्या ह्या भुरग्याची विवीध प्रस्नां मार्फत चाचपणी करतकच कळ्ळें कीं ह्या मनशाक शिक्षकी क्षेत्रांत वेगळें कितें तरी करून दाखोवपाची जबरदस्त इत्सा आसा. निवड जायतसावन ते आतांमेरेन ताणें तें सिध्दूय केला. भुरग्यांच्या व्यक्तिमत्व विकासाबरोबर तांच्या शिक्षणांत सुधारणा घडोवन हाडपाखातीर इश्कोलांत रातीचें भुरग्यांबरोबर रावून तांकां शिकपाक मदत करपी शिक्षक हे सदांच हातावयल्या

बोटांचेर मेजपा इतले आसतात. P.K. (म्हजे सोयीखातीर हांवें ताच्या नांवांचो केलो Shortform) हे तातुंतले. आडवाद. निर्व्यसनी, हुरहुन्नरी असो हो शिक्षक.

ताका कसलेंय काम सांगलें आनी ताणें ना म्हळें अशें केन्नाच जालें ना. ताका पळयतकच म्हाका एका मनशाची एक गोष्ट याद जाता. तो मनीस ''ना, नाका, न्हय' असले नकारार्थी शब्द आपल्या जिवितांत केन्नाच वापरिनाशिल्लो. एक मनशान ताचो बरो अभ्यास केलो आनी थारायलें कीं ताका 'ना' म्हणपाक लायतलोंच! आनी एक दीस ताचेकडेन कांय कामाच्या निमतान म्हणून वचून ताणें ताका नानाविध प्रस्न विचारले ज्या प्रस्नांचीं उत्तरां खंयतरी न्हयकारी शब्द येवकूच जाय आशिल्लीं.

लईराईचे जात्रेक नेमान वचपी हो मनीस अंदूं वचूंक पावूंना, देखून ताणें विचारलें: –

प्रस्न : अंदू लईराइचे जात्रेक गेल्लो काय ना रे?

उत्तर : पोरूं गेल्लों, फुडल्या वरसाय वतलों.

ताचो बापूय पेड्ड्यार जाला हें जाणून ताणें आनीक एक प्रस्न केलो. तातूंत ताका दिशिल्लें खंयतरी तो ''ना'' हो शब्द वापरतलो.

प्रस्न : तुंजो बाबा खंयच दिसनासो ? खंय गेला?

उत्तर : तांकां देवान आपोवणें धाडलें.

अशे प्रकारचे खूब प्रस्न विचारले पूण तो ' ना ' म्हणना देखून निमाणचें अस्त्र म्हणून ताणें एक असो प्रस्न विचारलो जाका न्हयकारी उत्तर येवंक येतालें. तो प्रस्न आशिल्लो तागेली शाळा आनी शिक्षण हाच्या संबंदान.

प्रस्न : तू खंयचे शाळेंत आनी कितलीमेरेन शिकला?

उत्तर : जाण्ट्यांची शिकपाची शाळा आसा जाल्यार सांग.

हाका 'ना' म्हणपाक लायतलोंच म्हणून मोट्या निश्चेवान आयिल्लो तो मनीस मनांतल्या मनांत आपली हार मानून गेलो. हें सांगपाचें कारण इतलेंच कीं P.K. हो एक असो मनीस जो केन्नाच ना म्हणून नकळो. कसलेंय काम सांगलें कीं तो ''करतां'' म्हण्टा आनी एखादें काम अशक्य सुद्धां आसल्यार 'पळयतां जाता जाल्यार,' 'प्रयत्न करतां' अशेंच कितेंतरी म्हणटलो, पूण ताचे Dictionary त

''ना'' हें उतर सहजासहजीं मेळना. हांव मुख्याध्यापक आसतना इश्कोलाची नाटिका बसोवपाचो प्रस्न आयलो तेन्ना एक वर्सा P.K. न ती जबाबदारी स्विकारली. म्हजे हजेरींत थोड्योश्यो खांचोखळग्यो शिकून घेतल्यो. मागीर तो कांय प्रमाणांत स्वतंत्रपणान दुसऱ्यान बरयिल्ल्यो नाटिका इश्कोलाखातीर दिग्दर्शित करतना पळोवन म्हजेसारक्या मनशाक लेगीत ताणें एक सुखद धक्को दिलो. दुसऱ्या वर्सा ''नमन'' ही कोंकणी एकांकिका बरोवन, दिग्दर्शित करून प्रयोगाच्या दुसऱ्या इनामासकट हेर कितलींशींच इनामां मेळोवन ताणें नाट्यमळावेलें आपलें पयलें पावल दणदणीत दवरलें. भौतेक लेखक असल्यावेळार जैत तकलेक मारून सोंपतात. P.K. हाका आडवाद. तो बरयत रावलो. इनामां मेळत गेलीं. आयज, मान्यताप्राप्त एकांकिका लेखकांचे वळेरेंत तो बसला.

धडपडी, तळमळी, उमेदी अशा ह्या म्हज्या मित्राच्या हे एकांकिका संग्रहाक म्हाका '' प्रस्तावना '' बरोवपाक मेळप हें म्हजें भाग्य अशें हांव समजतां. ताच्यो ज्यो नाटिका ह्या संग्रहांत प्रसिद्ध जाल्यात ताचे बद्दल हांव कांयच उलयना. तुमी वाचात आनी तो आनंद लुटात. पूण एक सांगचेंच पडटलें कीं ह्या नीज गोंयकारान बरयिल्ले दर एकांकिकेक गोंयचे मातयेचो, संस्कृतायेचो, वास येता. चुकीच्यो रुढी, परंपरा, अंधश्रद्धा हांचेर तो बडीय मारता आनी दर एकांकिका मनीसपणाचे भावनेक साद घालता इतलें मात खरें. एकांकीकार P.K. चो नाटककार जावपाचो खीण बेगीन अणभवपाक मेळचो अशी देवालागीं प्रार्थना करतां. P.K. एक नाटककार केन्ना ?

अजित केरकार

महालक्ष्मी, बांदोडें,
फोंडें, गोंय

हांव सदांच तांच्या उपकारांत उरतलों.

आयज म्हजें पयलें पुस्तक उजवाडा हाडटना म्हाका खूब खोस भोगता. ह्या वेळार फाटल्या १४-१५ वर्साच्यो कांय यादी म्हाका कश्योच सोडिनात. १९८९ वर्सा शिक्षक म्हण धारबांदोडेच्या नवजीवन विद्यामंदिरांत रुजू जालों. त्याच वर्सा इश्कोलाचे हेडमास्तर भौ. अजित केरकार हांणी विद्यालयीन एकांकी सर्तीखातीर एकांकी बसोवपाची जापसालदारकी म्हजेर सोपयली. हांवें एकांकी बसयली आनी इनामूय हाडलें. पूण एकांकी बसयतना केरकार सरांकडल्यान म्हाका नाट्यमळावेल्यो जायत्यो तांत्रिक गजाली शिकूंक मेळ्ळ्यो. तांच्या मोलादीक मार्गदर्शनाखातीरूच हें शक्य जालें.

दुसऱ्या वर्सा म्हजी तिस्कार वयल्या गोमंतक विद्यालयांत बदली जाली. थंयूय बी एकांकी बसोवपाचें काम म्हजेरूच पडलें. पयलीं दोन वर्सां हेर लेखकांच्यो एकांकी बसयल्यो पूण तिसऱ्या वर्सा बरी एकांकीकाच मेळना जाली. जेन्ना केरकार सरांक हांवें हे विशयीं म्हळें तेन्ना तांणी उरफाटो म्हाकाच प्रस्न केलो. 'तूंच कित्याक बरयना?' तांच्या फाटबळाचेर हांवें बरोवपाचो यत्न केलो. आनी पयल्याच यत्नाक म्हाका यश फावो जालें. तांणी एकांकी मळार म्हाका वाट दाखयली, ते वाटेर हांवें इनामांय मेळयलीं आनी तांणीच दाखयिल्ले साहित्यीक वाटेर आयज म्हाका पुस्तकाच्या रुपान पयलें फळ दिश्टी पडटा.

ह्या पुस्तकाखातीर प्रस्तावना बरोवपाक हांवें भौ. अजित केरकार सरांकूच विनवणी केली आनी तांणी ती मानून घेतली. रोखडीच बरोवनूय दिली. तांचीं आशीर्वादाचीं उतरां ह्या पुस्तकाक लाबल्यांत हें हांव म्हजें भाग्य समजतां. हांव सदांच तांच्या उपकारांत उरतलों.

गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'पयलो चंवर' येवजणेखाला हें पुस्तक उजवाडा आयलां म्हणून हांव तांचे मनस्पूर्वक आभार मानतां आनी गोवा कोंकणी अकादेमीच्या जाळवणदारांनी दिल्ल्या मोलादीक आदाराक लागून तांचे उपकार आठयतां.

कोंकणी लेखिका हेमा नायक हांणी हस्तलिखीत सुदारपाक दिल्ल्या मोलादीक मार्गदर्शनाखातीर हांव तांचो ऋणी आसां.

WORLD KONKANI LIBRARY

ॐ श्री दत्त पद्‌मजा प्रकाशनाचे भौ. कमलाकर म्हाळशी हांणी हें पुस्तक रुपकाराक येवपाखातीर खूबच कश्ट घेतले, देखून हांव तांच्या उपकारांत आसां.

ह्या पुस्तकाखातीर घरच्यांनी फाटबळ दिलां, इश्टांनी मार्गदर्शन केलां. ह्या सगळ्यांचो हांव उपकारी आसां.

हें 'नमन' तुमी मानून घेतले अशी आस्त दवरतां.

'सासाय'
निलगिरी हिल्स,
धवळी, फोंडें, गोंय.

पोकू काशिनाथ नायक

१. **नमन**
पयलो प्रयोग १९९३ वर्सा, कला अकादमी, विद्यालयीन एकांकी सर्त
पणजी – गोंय. ('काणी एका भाटकाराची' ह्या नांवांन)
निर्मणी – गोमंतक विद्यालय, धारबांदोडें
दिग्दर्शक –पोकू काशिनाथ नायक. सादरीकरण, दिग्दर्शन, अभिनय – दुसरें इनाम.

२. **गीत गावंया सैमाचें**
पयलो प्रयोग १९९७ वर्सा, कला अकादमी, विद्यालयीन एकांकी सर्त
पणजी – गोंय ('येरे येरे पावसा' ह्या नांवांन)
नर्मणी – गोमंतक विद्यालय, धारबांदोडें
दिग्दर्शक – पोकू काशिनाथ नायक
सादरीकरण, दिग्दर्शन, लेखन – दुसरें इनाम. उजवाडा येवजण – पयलें इनाम.

३. **भुरगींपणां देव जाणां**
पयलो प्रयोग   १९९६ वर्सा, कला अकादमी, विद्यालयीन एकांकी सर्त
पणजी – गोंय
नर्मणी – गोमंतक विद्यालय, धारबांदोडें
दिग्दर्शक – पोकू काशिनाथ नायक
सादरीकरणाचें तिसरें इनाम. लेखनाचें दुसरें इनाम, अभिनयाचें पयलें इनाम.

४. **साधुबाबा की जय**
पयलो प्रयोग १९९५ वर्सा, कला अकादमी, विद्यालयीन एकांकी सर्त
पणजी – गोंय (' गोष्ट ढोंगीबाबाची' ह्या नांवांन)
नर्मणी – गोमंतक विद्यालय, धारबांदोडें
दिग्दर्शक – पोकू काशिनाथ नायक.सादरीकरण, दिग्दर्शन, अभिनय – दुसरें इनाम.

५. **नाळे बा** – प्रयोग जावंना.

६. **केलें तुका जालें म्हाका** – प्रयोग जावंना.

मांडावळ

१. नमन ११

२. गीत गावंया सैमाचें २५

३. भुरगींपणां देव जाणां ३५

४. साधुबाबा की जय ४७

५. नाळे बा ५९

६. केलें तुका जालें म्हाका ६७

नमन

तरनाटो

भाटकार

येसो

सोमू

आपा

धर्मू

रघू

भोगू

माणकू

शबी

शेवतें

हेर लोक

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

नमन

(थळ : शिगम्याचो मांड. गांवच्या लोकांचो शिगम्याचें नमन घालपाचो दीस. नमन घालपी गांवकार माचयेर येतात आनी नमन सुरू करतात.)

पयलें नमन करतां धर्तरि माये गे

पयलें नमन करतां जाग्या पुरसाक बा

पयलें नमन करतां चुकल्यां माकल्यां बा

(वाजपा वांगडा नमन म्हणत सगळे वाटकुळे घुंवतात. नमन रंगार येता. तेन्नाच भायल्यान आवाज जाता.)

तरनाटो : बंद करात हें.

: कोण रे तो ?

तरनाटो : हांव, हांव सांगतां हें नमन बंद करपाक. हे कितें चलयलां तुमी? कसले कपलाचे खेळ चलयल्यात तुमी हे ?

: आरे थंय रावन कितें उलयता? कापाझदाद आसल्यार हांगा येवन उलय कितें उलोवपाचें आसा तें.

तरनाटो : रावात, थंयच रावात, हांवूच थंय येतां. (तो माचयेर येता.)

: हो रे? हेका हांवें काल पळयलेलो मुरे दामुल्या पसऱ्यार. थंय त्या पांडूल्या चेड्याक सांगतालो मुरे हो, ह्या वर्साच्यान शिगमो बंद उडोवया म्हणून.

: आनी ताणें हेगेलें आयकलें ना देखून हो हांगा बंद करपाक येयला?

: खंयची पीडा रे ही?

: गोपीगेर बिराडाक रावता मरे तो, फाटल्या एका वर्सासावन.

: कोणें हाडलो रे तुका हांगा?

: व्होंसिमार हांगाचो!

: येशा, तूं कर सुरवात. आतांच्या भुरग्यांचेर येयला सांवार. (ताका धुकलून घालतात आनी परत नमन सुरू करतात. तो परत तांकां आडायता.)

तरनाटो : ना! ना ! ना ! हांव तुमकां हें नमन घालूंक कसोच दिवचों ना.

: ना ? ना कशें?

तरनाटो : हें पळयात, विचार करात. हें नमन, तो धेंडलो, शिगमो, आमकां गरीबांकूच कोणें सांगला? थंय आमचीं शेतांभाटां लुटून मजा मारपी भाटकारांक तें कित्याक लागना?

: वोस रे! चड सुदारुंक येयला तो आमकां!

: दोन पुस्तकां शिकले कांय हेंकां दिसता आपूण व्हडलो एंप्रेगाद जालों.

: मळबाक हात तेकयलो.

: धवें खोमीस घातलें, आपूण लीडर जालो.

तरनाटो : ना, नारे पापयांनो. म्हजें म्हणणें आयकून तरी घेयात. तुमी म्हणटात तसो म्हजो हेतू ना.

: ना, ना कसो ?

तरनाटो : आयल्यान येयात सांगतां. पळयात, फाटले कांय म्हयने हांव ह्या गांवांत रावतां आनी पळयतां. पावस म्हणनासतना, वत म्हणनासतना रातीचो लेगीत दीस करीत, दनपार तिनसान म्हणनासतना तुमी मरसर काम करतात, आंगांतल्यान घाम गळयतात ताचें तुमकां कितें फळ मेळटा? मेळ्ळोच जाल्यार केन्नाय मार आनी कांयच ना! येशाबाब, म्हाका एक सांग, तुमी इतलीं वर्सां शेत रोयतात, काम करतात जाल्यार तुज्या कुल्यार धड वालो कित्याक ना? तुजी बायल धा कडेन पिनलेलें कापड कित्याक न्हेसता? तुजीं भुरगीं कपडे नासून नागडीं कित्याक भोंवतात? तुमकां उपाशी पोटार कित्याक न्हिदचें पडटा? हाचो केन्ना विचार केला तुमी?

: असल्यो कोदीगी सांगपाक स्वताक व्हडलो आदवोगाद समजता काय कितें रे?

: तूं बरेभशेन वोगी राव आं! पयलीं सांगोन दवरतां. म्हजें जर घुंवत तर कोंबो पिसुडटा तसो पिसुट्टलों धरून आं!

: तेचे पाड पोडों. तुमी कॉमेस करा पळोवया.

(ताका धुकलतात आनी नमन परत सुरू करतात. तरनाटो तांकां आडायता.)

तरनाटो : ना ! ना ! हें बंद करात.

: आरे पापया, कसलो अधर्म येयला रे तुजेर? हें नमन घातलें ना जाल्यार पायस पडचोना . गांवांक दुकोळ पडटलो दुकोळ.

: हय!

: आमी उपाशीं मरतले.

: आमचीं बायल, भुरगीं उक्ताडार पडटलीं.

तरनाटो : तुमी मरून तुमचीं बायल भुरगीं उक्ताडार पडपाक तुमच्या कुडींनी जीव आसा व्हय तर ? तशें जाल्यार हो जाता तो अन्याय सोसून तुमी वोगी रावचे नासले. तुमचेमदीं जर जीव आशिल्लो जाल्यार ह्या जुलूमशाही आड तुमी पेट्टून उठ्ठले आसले.

: आरे पापया, तुजें सगळें खरें. पूण तू सांगता तें करपाक आमचेकडेन कशेंच जावपाचें ना. ही वर्सांची भोगावळ आमकां करचीच पडटली.

: आपा, तूं तेका कितें समजायता?

: ताका कितलेंय समजायलें तरी उमत्या कळशार उदक.

: म्हाका दिसता, आयज देवचाराक कोंब्याच्या बदलाक आमकां हेचोच मान दिवचो पडटलो.

: तुवें परत आडमेळीं हाडलीं जाल्यार तुज्या हाडांचो पिठो जालोच म्हणून समज.

तरनाटो : म्हजो जीवूच तुमकां जाय जाल्यार तुमकां तोवूय दिवपाक हांव तयार आसां. तुमच्या आवय भयणांचेर हांगा अत्याचार जातात. तुमच्या तोंडातली शिता उंडी हांगा झोमोन घेतात. ताचें तुमकां कांयच पडून वचूं ना. हांगा तुमच्या कुस्तार भायल्यांक काम मेळटा, जाल्यार तुमकां कित्याक मेळना? म्हज्या गांव भावांनो, आमी जर हे अत्याचार, हे जुलूम अशेच सोशीत रावले जाल्यार आमकां ही फुडली जीण जगपाक लेगीत कुस्तार जातली. आयज मेरेन आमी भोगलें तें खूब जालें. आतां हे फुडें आमच्या भुरग्यां – बाळांचें कितें?

हांव तुमकां शिगमो सामको बंद करात म्हणना. आमी शिगमो खेळयाच. जोती म्हणया, होळी घालया, पूण ती भाटकाराच्या अत्याचारांची, ताच्या जुलमांची. पळयात, फाटल्यान नदर भोंवडावन पळयात. तुमचेर, तुमच्या आवय–भयणांचेर कसले कसले अत्याचार जाल्यात तांचो उगडास करात. येशाबाब, याद आसा न्हय तुका तो खीण? हाडात तो खीण दोळ्यांमुखार.

(काळोख जाता. कांय वेळान उजवाड – कांय वर्सां पयलींचो प्रसंग)

(भाटकार आनी ताचो मानाय आपलो मुंडकार येसो हांच्या घरा येतात).

भाटकार : येशा, हे येशा.

येसो : (भितरल्यान) येयलों, येयलों.

भाटकार : रघू, येशाक सांग बाबा आयला म्हूण. (येसो भायर येता.)

रघू : येशा, आयकोंक येयना रे बाबा उलो मारता तो ?

भाटकार : तुवें येयसर आमी हांगाच तिश्टत रावप मरे?

येसो : बाबा, हांव भितरले कुडींत आसलों देखून मात्सो वोगोत जालो.

भाटकार : येशा, ह्या वर्साचो भाताचो खंड तुवें घातलोच ना मुरे?

येसो : बाबा, तुमकां खबरच आसा, ह्या वर्सा पावसान सामकें विटयलें. रोयलेलें सगळें पावसाच्या भकीक गेलें.

भाटकार : तें आमकां कांयच लागना. आमकां आमचो खंड पावलो आमी मोकळे, कितें रघू?

रघू : हय तर !

येसो : ना बाबा, देवतेचो सोपूत घेवन सांगतां. ह्या वर्सा शेतांत कांयच पिकोना. तुमी कोणाकूय विचारल्यार जाता.

भाटकार : येशा, तुका कितें दिसता, तुवें सांगलेलें सगळें सत मानून आमी मोन्यांनी हांगाच्यान वतले म्हणून? म्हजें नाक बरें लांब हां! गांवच्या ह्या तोंकावयल्यान ते तोंकाकडेन जें कितें घडटा, ताचो वास म्हाका रोकडोंच लागता.

येसो : बाबा, म्हजेर विस्वास ना तुमचो?

भाटकार : येशा, आरे म्हजो खुद्द म्हजे बायलेचेर विस्वास ना, तो हांव तुजेर कसो दवरूं? रघू, चल भितर वचून पळोवन यो भाता पोटल्यो आसात काय ना त्यो?

रघू : वयतां बाबा !

भाटकार : चल बेगीन. सगळ्याक सारखें सोद. एक लेगीत कोनसो सोदी नासतना उरूंक जायना.

येसो : (रघूक आडोवपाचो यत्न करता, पूण तो ताका धुकलून भितर वता.) बाबा, फकत चार पोटल्यो आसात. त्यो जर तुमी व्हेल्यो जाल्यार म्हज्या बायल भुरग्यांचें कितें?

भाटकार : राव रे, आतांच तू सांगतालो मरे कांयच पिकोना म्हूण. मागीर ह्यो चार पोटल्यो खंयच्यो आयल्यो रे? आनी तुवें ते दोन वर्सांपयली घेतिल्ले दोन हजार रुपया केन्ना दिता रे?

येसो : बाबा, हांवें फकत दोनशींच रुपया घेतलेले. तितूंतले देडशीं रुपया हांवें पोरूं परत दिल्यात. फकत पन्नासूच रुपया उरल्यांत.

भाटकार : तुवें घेतिल्ले ते दोनशीं रुपया न्हय. दोन हजारच आनी तांतुतलो एकूय पयसो आजून तुवें परत दिवंना. (इतल्यांत रघू भायर येता.)

रघू : बाबा, भितर चार पोटल्यो आसात.

भाटकार : आरे आसात म्हणून आनी सांगपाक आयला? चल चारूय पोटल्यो घेवन यो. (येसो आडोवपाक वयता पूण लटाफटींत तो शेवटून भायर पडटा. रघू पोटल्यो भायर घेवन येता.)

येसो : बाबा, पांयां पडटां. ना म्हणूं नाकात. तांतुतल्यो दोन तरी पोटल्यो म्हाका दवरात. नाजाल्यार म्हजीं बायल भुरगीं सामकीं उपाशीं पडटलीं.

भाटकार : (येशाक खोटायता.) उपाशीं पडटात जाल्यार हातांत कट्टी घेवन बस बाजारांत वचून. चल रे धर्मूक उलो मार आनी दोगूय मेळून ह्यो पोटल्यो गाडयेंत व्हरून घालात.

(रघू दुसऱ्या मानायाक उलो मारता आनी दोगूय मेळून पोटल्यो व्हरतात. तांच्या फाटोफाट भाटकार वता. काळोख. उजवाड जाता.)

थळ : भाटकाराचें घर

भाटकार : रघू, आरे ए रघू.

रघू : कितें बाबा ?

भाटकार : आरे, तुका सांगिल्ल्या कामाचें किते केलां?

रघू : बाबा, तुमचें काम सारकें दिस्तादिस्त करून येयलां. शेवंत्याल्या चेड्याक पुलीसांक सांगून स म्हयने तरी कादयेंत दवरपाची व्यवस्था केल्या.

भाटकार : वा! एकदम बरें काम केलें तुवें! आतां पळयतां त्या शेवंत्याक . आतां ताचो तो जमनीचो कुडको म्हज्या बोल्सांत पडलोच समज. बरें हें पळय, आयज आमकां खंय वचपाक जाय तें खबर आसा न्हय?

रघू : खंय बाबा?

भाटकार : आरे, आयज आमकां कासाक वंचूक नाका? चल सगळी तयारी करुन दवर.

रघू : कासाक! बाबा, तयारी जालीच म्हणून समजात.

(रघू भितर वता, इतल्यांत शेवंते धांवत येवन भाटकाराचे पांय धरता.)

शेवतें : भाटकारा, भाटकारा पांयां पडटा. म्हाज्या चेड्याक पोलीसांकडल्यान

सोडयात.

भाटकार : आगो शेवंत्या, ताणें कितें तरी गुन्यांव केला आसतलो.

शेवतें : ना भाटकारा, तेणें कांयच गुन्यांव करुंना.

भाटकार : मागीर, पुलीसांनी ताका कादयेंत कित्याक उडयला तर ?

शेवतें : भाटकारा, तुमचीं गोरवां आम्च्या शेतांत पडलेलीं. म्हाज्या चेड्यान तांकां धावडायलीं देखून तुमच्या मानायांनी तेका धरून पुलीशेकडेन दिलो.

भाटकार : पूण ताणें गोरवांक धावंडायलेंच कित्याक? ताका खबर ना, तीं भाटकारालीं गोरवां म्हूण?

शेवंतें : भाटकारा, चूक जाली तेची. तेचे चुकीखातीर हांव तुमची चूक मागतां. पदर पसरतां. पूण म्हज्या पोराक सोडयात.

भाटकार : सोडयात म्हणटा ? सोडयतां.

शेवंतें : सोडयतात?

भाटकार : हय सोडयतां. पूण एक अट आसा.

शेवंतें : अट ? कसली अट?

भाटकार : (बोल्सांतल्यान कागद काडटा.) ह्या कागदाचेर तुका तुजो आंगठो लावचो पडटलो.

शेवंतें : कितें बरयलां त्या कागदाचेर?

भाटकार : तशें कांयच ना. फकत इतलेंच बरयलां, आयच्यान तुजो जमनीचो कुडको म्हजो जालो.

शेवंतें : ना , हांव आंगठो लावचें ना.

भाटकार : नाका लावंक. पूण तुका तुजो चेडो जाय काय नाका?

शेवंतें : आरे देवा! कितें करूं हांव आता? हो चांडाळ म्हज्या पोराक कसोच सोडचो ना. आंगठो लावचोच पडटलो. भाटकारा, खंय लावपाचो तो आंगठो?

भााटकार : हो हांगा. (भाटकार शेवंत्याल्या हाताक तींत लावन ताच्या आंगठ्याचीं निशाणी कागदाचेर काडटा.) शेवंत्या, आतां तुज्यान वचूंक जाता.

शेवंतें : भाटकारा, आतां सुट्टलो न्हू म्हजो चेडो?

भाटकार : सुट्टलो, पूण आनी स म्हयन्यांनी.

शेवंतें : स म्हयन्यांनी ? (घुंवळ येवन पडटा.)

(अशेच तरेचे फाटले कांय प्रसंग माचयेर दिसतात).

(उपरान्त काळोख. कांयवेळान उजवाड जाता तेन्ना परत शिगम्याचो मांड.)

तरनाटो : भावांनो, इतलेंच न्हय. भाटकाराल्या जुलमाचे सांगपासारके जायते प्रसंग आसात. आरे, ताणें तुमकां फकत उपाशीं पोटारूच मारूंना. ताणें तुमकां भिकेक लायले. तुमच्या भुरग्यांबाळांचेर केल्ले इतले अत्याचार तुमी विसरले? सांगपासारके जायतें आसा. तुमी विसरल्यात जातले. पूण हांव विसरूंक ना आनी केन्नाच विसरूंक शकचों ना. याद करात तो प्रसंग, ज्या प्रसंगान आख्ख्या गांवांचेरूच दुखाची हावळ हाडली. सगळ्या गांवकारांकूच लुळे पांगळे करून उडयले. भुरग्यांबाळांच्या इभ्रतीचेर घालो घातलो. हें हें सगळें तुमी विसरले? म्हाका आजून याद जाता तो दीस. गांवच्यो कांय बायलो आनी भुरगीं सदांचे भाशेन रानांत लाकडांक गेल्लीं. आनी मागीर घडिल्लो तो प्रसंग....

(काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना रानांत बायलां लाकडां हाणटात. तशींच भोरे बांदतात तीं दिश्टी पडटात. एकेवाटेन भाटकार आपल्या मानायाक त्या बायलांवाटेन कुरु करून सांगता.)

भाटकार : हें पळय, रघू, हें तें करमलाचें झाड दिसता न्हय तुका ? त्या झाडाकडेन एक बायल आनी चली लाकडां बांदतात पळय.

रघू : पळयलीं बाबा. ती सोमूली बायल आनी पयल्यान आसा तें तेगेलें चेडूं बाबा.

भाटकार : बरोबर. तींच. तुका सांगलां तें तेंच चेडूं. कळ्ळें मुरे?

रघू : हय बाबा.

भाटकार : सगळी तयारी सारकी केल्या मरे? काम व्यवस्थित जावपाक जाय.

रघू : बाबा, तेपासत तुमी कांयच भियोंवं नाकात. हांव तें ज्युस्त उडयतां. धर्मूकुय हांवें बरोबर हाडला. तो पळय, थंय लिपोन बसला.

भाटकार : बरें तर ! कामाक गडबड करूं नाकात. हांव तुमकां सांगला त्या जाग्यार आसतलों. तुमी नीट थंय येवप, कळ्ळें मरे?

रघू : हय बाबा, चलात तुमी. हांव सगळें ज्युस्त उडयतां.

(भाटकार वता. रघू धर्मूक आपोवन हाडटा. दोगूय झाडा फाटल्यान लिपून बसतात.दुसरे वाटेन बायलांलें लाकडां बांदप आनी उलोवप चालूच आसता.)

माणकू : आबोल्या, इल्लो फोपळा आसल्यार दिगो बाये.

आबोलें : घे मावशे. आगे, पूण ओंवळ बीन खंय पावली गे? घाटयेर, वयर बीन पावलीं काय कितें गे?

माणकू : तीं पळय, त्या कुमयाकडेन भोरे बांदतात. आतां इतलो वेळ कितें करतात म्हूण देव जाणां. आगो बाये, मात्सो कुलो घाल तेंकां. आनी करमला कडेन आसात तीं कोण गो?

आबोलें : शेवतें आनी भागरथ मावशी.

माणकू : हां तेंकाय उलो मार. आनी शेबी खंय गेलें गो तें? शेबीऽऽ बाये जावनां तुगेलें? कळाव जालो मुगो बाये.

शेबी : (भितरल्यान) जालें गे मावशे, येयलें.

(आबोलें पयस आशिल्ल्या बायलांक साद घालता, तशेंच शेंवत्याक उलो मारता. पयसुल्ल्यान जाप आयकूंक येता. कांय वेळान भोरे माथ्यार घेतिल्ल्यो कांय बायलां. चलयो येतात.)

माणकू : आगो कितलो वेळ रावप गो तुमकां? चला बेगीन, तिनसांज जाली पळय. बाये, म्हाका उकलीता मुगो ? (आबोलें माणकूक भोरो उकलता. आपलोय भोरो माथ्यार घेता आनी चलूंक लागतात. रघू आनी धर्मू तांकां आडायतात आनी सोमुली तरनाटी चली, शेबीक जबरदस्तीन उकलून व्हरतात. बायलां आकांतान बोब मारता. तातूंत एक ल्हान भुरगोय व्हडल्यान बोब मारीत धांवत सुट्टात... काळोख जाता... उजवाड जाता तेन्ना सोमूलें घर दिसता. भुरगो बोब मारीत धांवत येता.)

भुरगो : दादो ऽऽऽऽ ए दादोऽऽऽऽ

सोमू : (भितरल्यान) ओ ऽऽ येतां, येतां!

(दार उक्तें जाता आनी सोमू भायर येता.)

सोमू : कितें जालें पोरा ?

भुरगो : दादा, घात जालो. लाकडांसावन येतना शेबीक भाटकाराच्या गुंडांनी वोडून व्हेलें दादो.

सोमू : हाय म्हज्या देवा ! नशिबांत आनी कितें कितें सोसपाचें आसा कोंण जाणा!

भुरगो : शेबीक सोदूंक या न्हय दादो?

सोमूज : येद्या व्हडल्या भाटकारा बरोबर आमच्यांनी झुजणाक जाता रे म्हज्या

पुता? तुका आनी कितें सांगूं पोरा? आमी रडपा बगर आनी कांयच करूंक शकनात रे, कांयच करूंक शकनात.

भुरगो : दादो, तशें जाल्यार म्हाका आतां ह्या भिवकुऱ्या गांवांत रावपाचें ना. आयज हांव हो गांव सोडून वयतना हो सोपूत घेता. भाटकाराच्या आन्यायाचो बदलो घेवपाचो उजो म्हज्या आंगांत सदांच धगधगत रावतलो आनी व्हड जावन परत येवन हांव आमचेर जाल्ल्या अन्यायाचो बदलो घेतलोंच . येतां हांव.

(भुरगो वता. काळोख जाता... उजवाड जाता तेन्ना परत शिगम्याचो मांड दिसता.)

तरनाटो : त्या दिसा ना जाल्लो सोमू दादालो तो तो नेणार पोर दामगो म्हळ्यार हांव.

सोमू : पोरा...

तरनाटो : राव दादो, आमी मागीर उलोवया. आयज हांव देवाचे दयेन शिकून व्हड जालां आनी अन्यायाचो बदलो घेवपाक फाटल्या वर्सासावन संद पळयत तुमकां वळख दियनासतना ह्या गांवांत रावलों. आनी ती संद आयज आयल्या. भावांनो, हांवें शिगमो बंद करात म्हणटकीर धा जाणांची शक्त एकठांय केली तुमी, म्हाका मारपाक. तुमी म्हाका कितें, कितें वायट म्हळें ताचें म्हाका दुख्ख ना, पूण तुमच्यांत एकी करून झगडुपाची तांक आसा हें पळोवन हांव खोशी जालों.

(इतल्यांत भितरल्यान बोवाळ आयकूंक येता. कांय बायलां रडत माचयेर येतात. तांतूत येशाली बायल माणकूय आसा.)

माणकू : कोण तरी पावात रे म्हाका! म्हज्या धुवेक त्या चोराकडल्यान सोडयात रे!

: आगे, कितें जालां?

माणकू : म्हजे धाकले धुवेक उबारून व्हेलें रे आयज.

: खंय आसलें तर तें?

माणकू : मरुणात आसलें! म्हजेच बरोबर शेतांत कामाक गेलें. दुस्मानान घात घेतलो. कसलें हाती - तोंडावयलें पोर ! हांव मुखार चलतालें .. पोर फाटल्यान येतालें... फाटीं वळोवन पळयत जाल्यार पोराक कोणतरी उबारून व्हरता.

: कोण?

माणकू : मस्णो ! म्हाका फकत फाटूच दिसली ताची. तुरू तुरू करून चलतालो. चलतालो कसलो, धांवतालो पाड पडलेलो.

तरनाटो : मावशे, तूं कांयच भियोंव नाका. हो तुजो पूत आजून जितो आसा. म्हाका खबर आसा, तुजे चलयेक उबारून व्हरपी कोण तो. भावांनो, आजुनूय तुमी अत्याचार सोशीत रावतले ?

(सगळे आपले भितर उलयताले.) आरे थंय कितें उलयतात? तुमची धा जाणांची शक्त तुमी आयज दाखयतले काय ना?

: दामू ,आयजमेरेन वोगी रावले ताचो परिणाम आमी आयज पळयतात. ह्याफुडें आमी अशे वोगी रावचे नात. आयजसावन आमी तुजे बरोबर आसात.

सगळे : हय व्हय!

तरनाटो : तशें जाल्यार चलात तर. आनी कळाव नाका. यमन्याचें कितें बरें वायट करचे पयलीं आमकां भाटकाराल्या घराकडेन पावपाक जाय. दर वर्सा शिगमो नमन घालून सुरू जातालो. ह्या वर्सा तो भाटकाराली होळी घालून सुरू जातालो. चलात...

(काळोख. परत उजवाड. लोक मोर्चो घेवन भाटकाराल्या घराकडेन वतात. भाटकार घराकडेन बेजार स्थितींत हे वाटेन ते वाटेन पासयो मारीत आसता. इतल्यांत लोकांचो मोर्चो थंय पावता. मोर्च्यांतले लोक घोशणा दितात.)

: भाटकारा रे भाटकारा, भायर सर भायर सर.

: सोडचे ना रे सोडचे ना, मारले बगर सोडचे नात.

: एक दो, एक दो, भाटकारको फेक दो.

(मोर्चो भाटकाराल्या दारांत पावता. भाटकार भायर येता.

भाटकार : आरे कितें जालां, असो मोर्चो घेवन येवपाक ?

: येशाल्या यमन्याक तुवें उबारून कित्याक हाडलें?

भाटकार : कोण सांगता हांवें हाडला म्हूण?

: हांव , हांव सांगतां.

भाटकार : आरे पूण नमन घालपाचें सोडून तुमी हांगा कशे पावले? नमन घातलें ना जाल्यार कितें जातलें तें खबर आसा काय ना तुमकां? देवाचें रागणें

पडटलें. तुमी उपाशीं पडटले.

: इतलीं वर्सां म्हणून आमकां पोटभर जेवपाक खंय मेळ्ळां?

: आमी तुजेकडेन आयज मेरेन आमचेर जाल्ल्या अत्याचाराचो हिशेब मागपाक आयल्यात.

तरनाटो : उलय भाटकारा! तुवें येशालें शेतभाट खाल्लें काय ना? तुवें गांवच्या आवय भयणांचेर अत्याचार केले काय नात? तूं आतां आमचेकडल्यान बरेभाशेन कसोच सुटचो ना.

भाटकार : आरे पूण म्हजें म्हणणें आयकून तरी घेयात. (कोण कांयच आयकून घेवपाचे तयारेंत ना हें पळोवन भाटकार खुदपाक सुरवात करता.)

भाटकार : बाळकांनो, तुमी चुकल्यात. बाळकांनो, आयज तुमी नमन घातलें ना! (लोकांमदीं कुजबूज चलता.)

तरनाटो : भाटकारा, तुजी ती भार काडपाची पयलींची आयडिया काडून खुटयाळ्याक लाय. आरे, पळयतात कितें? चलात सरात फुडें.

(सगळे भाटकाराक मारपाक फुडें सरतात आनी पड्डो पडटा.)

गीत गावंया सैमाचें

राजा

प्रधान

शिपाय –१

शिपाय –२

फुडारी

वसुंधरा

लोकनाट्यांतले कलाकार

गीत गावंया सैमाचें

(थळ : राजा चक्रमादित्याचो दरबार. पड्डो वयर सरता तेन्ना 'होशियार ऽऽऽ चक्रमपूर राज्यके महाचक्रम सम्राट राजाधिराज चक्रमादित्य पधार रहे हैं ऽऽऽऽ' अशी ललकारी आयकूंक येता. फाटोफाट चक्रमादित्य महाराज आपल्या प्रधाना वांगडा दरबारांत येतात.

राजा : प्रधानजी, आमच्या चक्रमपूर राज्याची सध्याची परिस्थिती कशी कितें आसा?

प्रधान : तुमचे दयेन सगळें कितें बरें चल्लां. महाराज, तुमचे सारके रयतेची काळजी घेवपी दानशूर राजा आसात, देखुनूच सगळे लोक खुशालकायेन रावतात.

राजा : राज्यांतले प्रजेची काळजी घेवप हें तर राजाचें पयलें कर्तव्य जावन आसा प्रधानजी. लोक आसात म्हूण आमी आसात. नाजाल्यार आमकां कोण विचारता? बरें, काल ख्यास्त दिल्ल्या चोराक कादयेंत उडयलो काय ना?

प्रधान : कालूच उडयलो महाराज. चोराक फावो तीच ख्यास्त दिल्लेखातीर लोक तुमची तुस्त करतात महाराज.

राजा : प्रधानजी, राज्यांत सवस्तकाय दवरपाखातीर योग्य न्याय करपूय तितलेंच गरजेचें आसता. गरीब रैताक धीर दिवपाखातीर,तांच्या मनांतलो भंय पयस करपाखातीर गुन्यांव करतल्यांक खर ख्यास्त दिवपाकूच जाय.

प्रधान : हय महाराज.

राजा : गरिबांक वाटपाच्या सामानाचें कितें केलां?

प्रधान : ताची सगळी व्यवस्था जाल्या महाराज. आयज सकाळींच आमच्या गुदांवांतल्यान सामान घेवन शिपाय वाटपाखातीर गेल्यात महाराज.

राजा : पंचायतीचो कारबार करसो कितें चल्ला? आनी पंचायत मंत्री खंय गेल्यात?

प्रधान : महाराज, निकतेच जाल्ले पंचायत वेंचणुकेंत तांचे सगळे उमेदवार हारिल्ल्याान तांचीच पंचायत जाल्या.

राजा : बरें आसा. राज्यांतले उद्देगधंदे कशे कितें चल्ल्यात?

प्रधान : एकदम बरे चल्ल्यात महाराज . भायल्या राज्यांतल्यान बरेच लोक उद्देगधंद्याखातीर तशेंच चाकरेखातीर आयल्यात. तुमच्या उदारनीती खातीर हें घडपाक पावलें महाराज.

राजा : आमच्या राज्यांतले लोक सुखी जावचे अशीच आमची इत्सा आसा प्रधानजी.

प्रधान : देखुनूच तर लोक तुमचे गुण गायतात महाराज.

राजा : राज्यांत उद्योगधंदे बरे चल्ल्यात, मागीर तयार जाल्लो माल खपता काय ना?

प्रधान : एकदम बरो खपता महाराज. भायल्या राज्यांतल्यान मालाक भरपूर मागणी आशिल्ल्यान, तयार जावपी मालांतल्यान चडसो माल भायर वयता महाराज.

राजा : कामगारांखातीर रावपाची व्यवस्था कशी कितें केल्या?

प्रधान : बेस बरी केल्या महाराज. तांकां कसलीच अडचण ना. पूण महाराज....

राजा : पूण कितें? सांगात कितें सांगपाचें आसा तें.

प्रधान : महाराज, आमच्या राज्याची उदगरत जावची, आमचें राज्य भारतांतलें एक आदर्श राज्य जावचें, उदरगतीच्या मळार एक नंबरचें राज्य जावचें म्हूण आमचे यत्न चालू आसात महाराज.

राजा : मागीर फुडें कितें जालें त्या यत्नाचें?

प्रधान : तेंच तर सांगतां महाराज . उद्देगीक तशेंच अर्थीक उदरगतीखातीर आमी राज्यांत खूबकडेन उद्देग नगराची थापणूक केल्या. ह्या उद्देग नगरांतल्यान विंगड विंगड कारखान्यांत लोकांक उपेगी अशो वस्तू तयार जातात. महाराज, ह्या कारखान्यांखातीर व्हडल्यो व्हडल्यो इमारती बांदच्यो पडल्यो.

राजा : हे खातीर खंयची सुवात घेतली?

प्रधान : महाराज, रानमंत्र्यांच्या आदारान गरज आसा थंयच्या रानांतलीं झाडां मारून उडयलीं. आनी चडांत चड मेकळी सुवात तयार केली. त्या जाग्यार नवे उद्देग धंदे सुरू केले. तशेंच कामगारांखातीर घरां बांदलीं.

(इतल्यांत भायल्यान 'उदक दियात, उदक दियात. पिवपाखातीर उदक दियात. उदकाचो उणाव पयस करात.' अशो घोशणा आयकूंक येतात.)

राजा : प्रधानजी, भायर कसलो बोवाळ चल्ला? लोक कसल्यो घोशणा दितात?

कितें चल्ला तें पळयात पयली.

प्रधान : जी महाराज. शिपाय, भायर वच आनी घोशणा दिवप्यांच्या फुडाऱ्याक घेवन यो.

शिपाय : जी महाराज. (भायर वचून फुडाऱ्याक घेवन येता.)

फुडारी : महाराजांचो जय जावं!

राजा : कोण तुमी? आनी ह्यो घोशणा कित्याखातीर? हो कसलो गोंधळ चल्ला?

फुडारी : तुमच्या कामांत आडखळ हाडिल्लेखातीर माफ करात महाराज. आमी तुमच्याच राज्यांतले रैत महाराज. आनी हो गोंधळ न्हय महाराज. हो आमच्या जिवीताचो प्रस्न जावन आसा. व्हडा आशेन आमी तुमचेकडेन आयल्यात महाराज.

राजा : तुमकां कितें सांगपाचें आसा ते मात्शें स्पश्ट सांगात.

फुडारी : सगळ्याक दुकळ पडला. आमकां पिवपाखातीर लेगीत उदक ना. जें उदक आसा तें राज्यांतल्या व्हडल्या – व्हडल्या कारखान्यांनी पावयतात. फाटले कितलेशेच दीस उदक नासून आमी तळमळटात. आमचीं गोरवां तडफडून मरतात. खंयचोय मंत्री आमची कागाळ कानार मनार घेयना महाराज. तुमचेबगर आमी आमची फिर्याद कोणाकडेन व्हरपाची महाराज?

राजा : प्रस्न गंभीर आसा खरो! प्रधानजी, हे जें कितें सांगतात तें सारकें आसा?

प्रधान : म .... म .... महाराज तुमकां हांव....

राजा : वोग्गी रावात! कळ्ळीं तुमचीं शाणेपणां. राज्याची उदरगत करतात खंय. पयलीं उदकाच्या उणावाचेर उपाय सोदात.

प्रधान : माफ करात महाराज . राज्यांत अंदू पावस खूब थोडो पडलो. तेखातीरच हें संकट आमच्या राज्यार आयलां.

राजा : इतलें व्हडलें अरिश्ट आयिल्लें आसतना तुमी हें प्रकरण आमच्या कानार कशें घातलें ना?

प्रधान : माफ करात महाराज, आमची चूक पोटांत घालची.

राजा : बरें. पूण हो उदकाचो येदो व्हडलो प्रस्न सुट्टलो कसो?

प्रधान : महाराज, म्हाका दिसता पावस आयलेबगर हो प्रस्न सुटचो ना.

राजा : आमच्या राज्याचेर पावसाचें अशें रागणें कित्याक म्हूण पडचें?

प्रधान : महाराज, आतां कितें करपाचें?

राजा : फुडारीबाब, वचात तुमी आतां. तुमी कांयच भियोवं नाकात. आमी तुमकां अशे उबंत उडोवचे नात. उदकाच्या उणावाचेर आमी कशेय तरी उपाय काडटलेच. (फुडारी महाराजांचो जयजयकार करीत वयता). प्रधानजी, आयजच राज्यभर पेरगांव घालात. जो कोण पावस येवपाचेर उपाय सोदून काडटलो ताका जाय तें इनाम मेळटलें.

प्रधान : जी महाराज. (काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना पेरगांव घालपी शिपाय तासो वाजयत येता.)

शिपाय : (तासो वाजयत) आयकात ऽऽऽ आयकात ऽऽऽ आमच्या चक्रमपूर राज्यांत पावस नाशिल्ल्यान दुकळ पडला. महाराजांची ओर्द आसा कीं जो कोण पावस येवपाचेर उपाय सोदून काडटलो ताका भरपूर इनाम मेळटलें ऽऽऽऽ (तासो वाजयत शिपाय वयता. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना चक्रमादित्याचो दरबार.)

राजा : प्रधानजी, पेरगांव घालून कितले दीस जाले?

प्रधान : एक म्हयनो जालो महाराज.

राजा : मागीर पावसाचेर उपाय सांगपाक अजून कोणूच कसो येवंक ना?

प्रधान : महाराज, म्हाका दिसता हाचेर उपायच नासतलो.

राजा : वोग्गी रावात! कितें तरी उपाय आसुंकूच जाय. (इतल्यात शिपाय भितर येता.)

शिपाय : महाराजांचो जय जावं.

प्रधान : कितें खबर हाडल्या?

शिपाय : महाराज, भायर एक तरनाटी चली आयल्या. तिका महाराजांक मेळपाक जाय खंय.

राजा : तिका भितर धाडून दियात. (शिपाय भायर वयता.) ही तरनाटी चली आनी कित्याक आयल्या काय?

(शिपाय चलयेक घेवन भितर येता.)

चली : महाराजांचो जय जावं! महाराज, हांव वसुंधरा. तुमचें पेरगांव आयकून आयलां. तुमच्या राज्यांत पावस पडपाखातीर हांव उपाय सांगूंक सोदतां.

प्रधान : पूण महाराज, एक चली पावसाचेर उपाय कसो कितें काडूंक शकतली?

चली : कित्याक काडूंक शकना? तुमकां कितें दिसता, फकत दादलेच हुशार आसतात म्हूण? बायलमनीस लेगीत आयज तितलीच फुडारलेली आसा

महाराज.

राजा : कितें अणभव आसा?

चली : अणभवाची बरीच व्हडली पोटली म्हजेलागीं आसा महाराज. तुमच्या राज्यांतलो उदका प्रस्न सोडयतलेच असो म्हाका विस्वास आसा. हांव हांगा आयलां तें मान सकयल घालून वचपाक न्हय.

प्रधान : प्रस्न सुटलो ना जाल्यार?

चली : तुमी जें कितें सांगतले तें म्हाका मान्य आसा.

राजा : बरें आसा. तर सांगात तुमचो उपाय!

चली : महाराज, आमचो एक लोकनाट्य पंगड आसा. वायट गजालीं आड लोक जागरण करपाचें काम आमी लोकनाट्यांतल्यान करतात.

राजा : पूण ताचो हांगा कितें संबंद?

चली : तेंच सांगता महाराज. दुकळाचे वायट परिणाम आनी पावसाचेर उपाय ह्या गजालींचेर आदारिल्लें लोकनाट्य सादर करपाची आमकां आज्ञा दिवची महाराज.

राजा : आज्ञा आसा. पूण तशें केल्यार कितें जातलें?

चली : तशें केल्यार उदकाचें म्हत्व तुमचे बरोबरूच हांगा हाजीर आशिल्ल्या लोकांकूय समजतलें महाराज, तांचें मनोरंजनूय जातलें.

राजा : चलात तर सुरू करात तुमचें लोकनाट्य.

चली : जी महाराज. (काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना भायल्यान 'बाबांची' पालखी येता. 'पावसा पावसा बेगीन यो' असो गजर पालखे बरोबरचे लोक करतात. ल्हवू ल्हवू पालखी माचयेर येता. पालखी सकयल दवरतकीर 'बाबा' चेर भार येता आपल्या भोंवतणीं घुंवत घुंवत मळबांत मंत्र मारता पावस पडपाक लागता. भुरगीं पावसांत नाचतात. ल्हवू ल्हवू एकेकडेन जमा जातात. बाई कविता शिकयता – यो रे यो रे पावसा, तुका दिता पयसो, पयसो जालो खोटो , पावस आयलो मोटो, अशें म्हणत सगळीं नाचपाक लागतात कांय भुरगीं घर तयार करतात. तातूंत सगळीं भुरगीं भितर सरतात आनी गीत म्हणटात – पावस पडलो रिमझीम, आंगण जालें ओलेंचिंब - पावस पडलो मुसळधार, रान जालें पाचवेंचार – ल्हवू ल्हवू भितर वयतात. बायला हांडीर कळशे घेवन 'यो गे यो गे दडके, भर गे म्हजें मडकें' अशें म्हणत येतात आनी कळशे जमनीर

दवरतात. चले' दडक आयली धांवोन , मडकी गेली व्हांवोन' अशें म्हणत मुखावयल्यान नाचत वयतात. उपरांत, इतलें - इतलें पाणी - आनी थोडें पाणी अशें म्हणत उदक वाडटा असो देखाव उबो करतात. नुस्तेंकार जाळान नुस्तें पागतात - शेतकार शेतांत काम करतात. उपरांत न्हावपाखातीर नळालागीं येतात. अकस्मात उदक वयता. दुकळ पडिल्ल्यान लोक गांव सोडून वयतात. वाटेर कांय लोक मरतात. एकेकडेन रेबो दिसता - मुखेली तुवालो हातरून ताचेर रेबो दवरून पिळटा. सगळे शी ऽऽ म्हणटात. इतल्यांत एक चली मुखार येता.)

चली १ :शी ऽ म्हणों नाकात. ही पाळी तुमचेरूय येवंक शकता.

चली २ : उदक जिरयात, उदक वाचयात.

चली ३ : उदकाचो योग्य उपेग करात.

चली १ : झाडां लायात, झाडां वाचयात.

(ल्हवू ल्हवू सगळीं गोंयच्या सैमाचें गीत गायत नाचतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना परत चक्रमादित्याचो दरबार).

राजा : वा ! वा ! बाय वसुंधरा, दुकळाचें हें दुखेस्त चित्र आमच्या लक्षांत हाडिल्लेखातीर धन्यवाद.

चली : महाराज, लोकनाट्यांत दाखयला तसो भरपूर पावस पडटलो. पूण हांव सांगतां तो प्रयोग सदांच चालू दवरपाक जाय.

राजा : प्रधानजी , न्हिदतात कितें? तें सांगता ताचेर लक्ष दियात. बाय, तूं सांग.

चली : महाराज, आयच्यान राज्यांतल्या रानांतलीं झाडां मारपाचेर बंदी घालात. झाडां मारतल्यांक कडक ख्यास्त दियात. पडिंग जमनीर झाडां रोयात. तांची राखण करात. लोकांकूय झाडां रोवपाक उर्बा दियात.

प्रधान : तशें केल्यार कितें जातलें?

चली : ल्हवू ल्हवू दोंगर पाचवेचार दिसूंक लागतले. तेच भाशेन घरांच्या तशेंच मळांच्या चारूयवाटांनी झाडां रोवचीं. रस्त्याच्या कुशीकूय झाडां रोवचीं. म्हणजे परत सगळेकडेन पाचवेंचार दिसूंक लागतलें.

राजा : पूण पावसाचो आनी झाडांचो कितें संबंद?

चली : आसा, आसा महाराज. आवयचो आनी भुरग्याचो आसता न्हय? तसो पावसाचें एक शास्त्र आसा. जंय झाडां चड आसतात थंय पावस चड

पडटा. तुमच्या राज्यांत झाडां सामकीं उणी जाल्यांत. तेखातीर पावसाचें रागणें पडलां. झाडां व्हड जालीं, दोंगर पाचवेचार दिसूंक लागले म्हणटकूच आपशींच पावसाचीं कुपां एकठांय येतलीं. वरूण राजाचें रागणें पयस जातलें. मागीर कितें! सगळेकडेन पावसूच पावस!

राजा : वा ! वा ! कितलो मोलादीक उपाय सांगलो तुवें. प्रधानजी, आयजूच रानांतलीं झाडां मारपाचेर बंदी घातिल्ल्याचो फतवो काडात. आतांच्या आतां हांच्या इनामाची व्यवस्था करात.

चली : महाराज, आमी हांगा इनामाचे आशेन येवंक नात. आमकां इनाम बीन कांय नाका. पूण तुमची आज्ञा आसत जाल्यार म्हाका हांगा हाजीर आशिल्ल्या लोकांक कितें सांगपाचें आसा.

राजा : बरेभाशेन सांगात!

चली : समेस्तांनो, आमीय बी घडलीं, तुमीय बी घडात. (ल्हवू ल्हवू हेर कलाकार माचयेर येवन तांकां साथ दितात. ल्हवू ल्हवू पड्डो देंवता.)

■

भुरगींपणां देव जाणां

बाई

प्रज्यू

नितू

विमल

लिलाबाय

सपना

प्रज्योती

शबनम

नेताजी

शाळेंतली भुरगीं

भुरगींपणां देव जाणां

(थळ : शाळेचो एक वर्ग.घांट जातकर भुरगीं बोवाळ घालीत वर्गांत येतात.
तांचो बोवाळ चालूच आसता.
इतल्यांत बाई येता.)

भुरगीं : नमस्ते बाई.

बाई : नमस्ते, बसात.

: बाई काणी...

बाई : रावात मरे, पयलीं हजेरी घेवंया. (बाई हजेरी घेता.) नीलम, पूनम, पंकज .... प्रज्यू

: बाई तें आजून येवंना.

बाई : तें कालय उसरां आयिल्लें न्हय?

: हय बाई. बाई, तें सद्दां उसरां येता.

: जाणां बाई, तेचें घर न्हूं व्हड ना.

बाई : केदें आसा तर ताचें घर?

: इल्लेंशें खोपूट बाई.

: बाई, तेचो पाय न्हूं बेबदो.

: आनी तेची माय न्हूं नुस्तें विकता बाई.

बाई : अशें तूं सागं गो, तुजो बापूय कितें करता?

: गाडी चलयता बाई.

बाई : तुजो गो?

: घरां बांदता बाई.

बाई : आनी तुजो?

: दुकानार आसता बाई.

: बाई, म्हजी मम्मी कपडे शिंवता.

बाई : म्हणजे तुमची मम्मी आनी पप्पा कसलें तरी काम करता न्हय?

: हय बाई.

बाई : तीं काम कित्याक करतात?

: पोट भरपाक बाई.

बाई : तुमचे आवय बापूय जशे पोट भरपाखातीर काम करतात तशेंच तांचीय बीन मांय तांचे पोट भरपाखातीर काम करतात.

(इतल्यांत दारांत प्रज्यू उबें रावता.)

प्रज्यू : बाई, भितर येवं?

बाई : यो. कितें गो? आयजूय शाळेंत येवपाक तुका कळाव जालो मुगो? कित्याक उसरां आयलें?

प्रज्यू : (भितर येवन) बाई ,रांदपाक लागून वोगत जालो.

बाई : चल बस. (प्रज्यू बसूंक वयता, पूण ताचे सुवातेर पूनम बसलां.)

प्रज्यू : पूनम, म्हजी सुवात म्हाका दी.

पूनम : वस गो, हांव उठना. थंय बस.

प्रज्यू : बाईक सांगूं?

पूनम : सांग गो.

प्रज्यू : बाई, पूनम पळय म्हजे सुवातेर बसला. उठ म्हणल्यार उठना. बाई, तें म्हाका फुड्यांकूय बसूंक दिना.

बाई : कितें जालां गो पूनम? तूं ताका तुज्या फुड्यांत कित्याक घेना?

पूनम : बाई, तेच्या आंगाक नुस्त्याची घाण येता.

बाई : कितें, नुस्त्याची घाण? प्रज्यू ,हांगा यो. (प्रज्यू बाईफुड्यांत येता. बाई वास घेता) खंय गो? नुस्त्याचो वास खंय येता?

: बाई, तेची मांय नुस्तें विकता न्हू?

बाई : मांय नुस्तें विकल्यार नुस्त्याचो वास येता गो? चल प्रज्यू, तूं थंय पुनमा फाटल्यान बस. (प्रज्यू वचून बसता.)

: बाई, काणी!

बाई : पयलीं म्हाका सांगात, तुमी कोणें कोणें काणी सांगल्या? (थोडीं भुरगीं हात वयर काडटात.) प्रज्यू आनी सूरज उरल्यात न्हय?

: हय बाई.

बाई : आयज पयलीं प्रज्यू काणी सांगतलें. मागीर हांव तुमकां काणी सांगता. प्रज्यू सांगता न्हय?

प्रज्यू : हय बाई. (प्रज्यू उठून बाई फुड्यांत उबें रावता आनी काणी सांगता आनी जाग्यार वचून बसता.)

बाई : प्रज्यू, हांगा यो. सगळ्यांपरस काणी बरी आशिल्ली प्रज्यूली. प्रज्यूक धांतले आठ मार्क मेळ्ळे. सगळींजाणां ताळयो मारात. प्रज्यू, तुवें खरेलीच बरी काणी सांगली. (प्रज्यू रडटा.) आगो, अशें पिश्याभशेन रडटा कित्याक? कितें जालां? चल, पूस ते दोळे आनी जाग्यार बस.

(प्रज्यू जाग्यार वचून बसता.)

: बाई, आतां तुजी काणी.

बाई : हांव काणी सांगूं?

: सांग बाई.

बाई : कसली काणी सांगूं?

: वागाची.

: कोल्याची...

: भूताची..

बाई : ना ! हांव तसली काणी सांगचें ना. हांवूय बीन तुमकां एके माणकुले चलयेची काणी सांगतां. जाणां भुरग्यांनो, एक ल्हान माणकुली चली आशिल्ली. ताचें नांव कितें आशिल्लें जाणांत तुमी?

: कितें आशिल्लें?

बाई : ताचें नांव आशिल्लें नितू. एके न्हंयचे देगेर तांचें एक सोबीतशें घर आशिल्लें. ताच्या वांगडा ताची मम्मी रावताली, ताचो पप्पा रावतालो आनी आजीय बीन रावताली. तुमकां आसा न्हय आजी?

: हय बाई.

: बाई, म्हजी आजी म्हाका सद्दां काणी सांगता.

बाई : हय? तशीच ताचीय आजी ताका सद्दां काणी सांगताली. ताचो पप्पा अभ्यास घेतालो . ताका शाळेंत व्हरतालो आनी हाडटालो.

: बाई , म्हजोय पप्पा म्हाका शाळेंत हाडून पावयता.

: बाई, म्हाका सायकलीन पावयता.

: म्हाका स्कुटरीन पावयता बाई.

बाई : पावयता मरे? तशेंच ताका हाडून पावयतालो. पूण एक दीस कितें जालें जाणां? नितूचो पप्पा लकत लकत घरा आयलो.

: बाई, ताका दमो जाल्लो दिसता.

बाई : ना तो सोरो पियोवन आयिल्लो. त्या दिसाच्यान तो सद्दां सोरो पिवपाक

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
1373
विश्व कोंकणी पुस्तकालय

लागलो. आनी एक दीस तो ऑफिसाक कामाक म्हूण गेल्लो तो घराय आयलोच ना. ताका सोदूंक वचत जाल्यार कितें पळयतलीं? तो रस्त्यार आडवोच पडिल्लो. ताका जीव बीन कांयच नाशिल्लो. तो देवा घरा गेल्लो. त्या दिसाच्यान नितू एकटें – एकटें रावपाक लागलें.

: कित्याक बाई?

बाई : कित्याक तर ताका तुजो पप्पा बेबदो म्हूण सगळीं भुरगीं चाळयतालीं. तुमी जशीं प्रज्यूक चाळयता न्हय, तशींच. आनी एक दीस असो आयलो कीं नितूचें पुराय जीवीतच बदलून गेलें. ताचें कितें जालें जाणात? ... (काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना इश्कोला भायल्या मळार भुरगीं परिक्षेचो आपलो पेपर सोपोवन घरा वतना दिश्टी पडटात.)

शबनम : कितें पळयता गो सपना? आगो एऽऽ, तुका विचारतां हांव.

सपना : गणितां पळयतालें गो. आयचो पेपर सामको कठीण गेलो म्हाका. तें नितू म्हणून सामकें कुसकें. दाखय म्हळ्यार एक लेगीत गणित दाखोवं ना मुगो ताणें म्हाका.

शबनम : हांवें तशें बरयला गो. पळोवया कितें जाता तें. टिचरीन दोन–तीन गणितां दाखयलीं म्हाका.

सपना : तुजें आपलें बरें गो. तूं जातलें पास . म्हाका तीन चार मार्क बीन पडल्यार बरे आसात.

शबनम : भियोवं नाका गो तूं, जातलें तूं पास!

सपना : आसूं तें, चल या आमी. (इतल्यांत इश्कोलांतलें एक भुरगें प्रज्योती धांवत येता.)

प्रज्योती : सपना, शबनम, रावात मुगो. मजा सांगतां.

शबमन : कितें जालें गो?

सपना :

प्रज्योती : नेताजीची कॉपी धरली.

शबनम : कितें ? नेताजीची?

सपना :

प्रज्योती : हय!

शबनम : कोणें?

प्रज्योती : हेमा टिचरीन.

सपना : कशी?

प्रज्योती : बाका पोंदा धरून बरयतालो.

शबनम : .... कितें? हो पळय नेताजी येता. (नेताजी येता.)

शबनम : नेताजी कितें जालें रे?

नेताजी : जातलें आनी कितें? नितून सगळी वाट लायली.

सपना : आतां कितें जातलें?

नेताजी : पडटलो गड्डो, आनी कितें? स्वताक व्हडलें स्कॉलर समजता मुगो तें? तुगेल्या पप्पाल्या स्कुटरीचेर आनी येता मुगो तें?

सपना : हय. आतां हांव सांगतलें पप्पाक ताका हाडूं नाका म्हूण.

प्रज्योती : हांव जाल्यार ताका म्हजेबरोबर खेळपाक सुद्धां घेवचें ना.

शबनम : हांव म्हणून चड घेतां!

नेताजी : हयवय, तशेंच करात तुमी. बरीच बुद्ध शिकोनी.

सपना : हां आनी जाणां मरे नेताजी, नितूचो पप्पा मुरे बेबदो.

नेताजी : कितें?

सपना : हय!

नेताजी : बरेंच जालें सांगून. येवं दीच तेका. ये थंय रावुंया आनी चाळोवया. (इतल्यांत नितू येता.)

नितू : सपना, शबनम, रावात मुगो.

सपना : वदळ गणित दाखय म्हणल्यार दाखय नाशिल्लें, आनी आतां मात आमी जाय? फाल्यांच्यान आमच्या पप्पाले स्कुटरीचेर सुद्धां येवं नाका. चल या रे आमी.

नेताजी : राव गो सपना. जाणां मुगो ! एकट्यालो पप्पा बेबदो.

नितू : पळय आं, हांव मम्मीक सांगतलें.

नेताजी : सांग – सांग. मम्मीक सांग नाजाल्यार आजेक सांग. आमी खंय भितात?

प्रज्योती : तुजी मम्मी गेली तेल लायत.

सगळीं : नितूचो पप्पा बेबदो .. नितूचो पप्पा बेबदो...

(नितू रडत रडत वयता. ताच्या फाटल्यान बाकीचीं भुरगीं ताका चाळयत वयतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना नितूच्या घरांत नितूची आजी लिलाबाय तांदूळ वेंचूंक बसलेली दिसता. तांदूळ वेंचतना तिचें लक्ष दाराकडेन आसता.)

लिलाबाय : विमल ऽऽ ए विमल, आगो अमास केन्ना गो?

विमल : (नितूची मम्मी भितरल्यान) आयज न्हय गे?

लिलाबाय : धालांक लागून म्हणलें गो. धालांक केन्ना रावतात खंय उबीं?

विमल : रावतलीं गे दोन – तीन दिसांनी.

लिलाबाय : मांडा दिसा नाटक बीन आसा काय ना गो अंदूं?

विमल : आसा तर. इतिहासीक नाटक आसा.

लिलाबाय : ते हेका पार्ट आसा काय ना गो?

विमल : कोणाक गे?

लिलाबाय : शांतारामाल्या चेड्याक गो.

विमल : आसा तर! शिवाजीचो पार्ट आसा तेका.

लिलाबाय : अशें? आनी वेळ कितलो जालो गो?

विमल : जातलीं गे स.

लिलाबाय : नितूचो पेपरं कितल्यांक सोंपता? आयज कळाव सो जालो मुगो तेका.

विमल : जालें गे आई तें येवपाचें.

लिलाबाय : (नितू घरांत भितर सरता तें पळोवन) हें पळय़, येयलें गो बाय नितू! बाय, वेळ कित्याक जालो आयज घरा येवपाक? (नितू जाप करीनासतना वग्गी आपल्या कुडींत वयता.) आं, हेचे किते जलां आयज? सद्दां आज्ञे म्हणले बगर भितर सरनासलें तें आयज वग्गीशें गेलें. (नितू आपले कुडींत वचून दफ्तर मेजार शेवटिता. बूट आनी मेय काडून कोनशाक उडयता आनी तशेंच पांगरणें घेवन खाटीर न्हिदता.)

लिलाबाय : विमल, बाय सामकें तेंगशेला आसतलें, तेका च्या दी गोऽऽऽ

विमल : येयलें गे. (च्या घेवन येता.) बाय नितू च्या घे मुगो. आरे हेचें कितें जालां? बाय नितू कित्याक न्हिदलां गो? उठ, च्या घे. (नितू जाप करीना.) आई, तें न्हिदलां मुगे! (च्या थंयच दवरता.)

लिलाबाय : आगो आयज जालां कितें तेचें? म्हजेकडेनय सारकें उलोवंक ना. पेपराक वयतना तर बरें गेल्लें. तुवें बीन कितेंय म्हणोना मुगो तेका?

विमल : नागे आई, हांवें कांयच म्हणोना तेका.

लिलाबाय : तरी पूण आयज तेचें कितें तरी बिनसलां खरें. उठय पळोवया तेका. विचारूंया तरी कितें जाला तें!

विमल : हांव व्हदळच्यान उठयतां तेका आई, पूण तें जागें आसुनूय न्हिदेचीं

संवगां करता, तेका करपाचें कितें?

लिलाबाय : संवगां करता? अशें केन्नाच करपी न्हय मुगो तें! आंग बी तापूंक ना मुगो तेचें?

विमल : (हात लावन पळोवन) कांय ना आंग बी तापूंक. आतां तेंवूय लागलां म्हाका पिडूंक. (विमल रडत भितर वयता.)

लिलाबाय : (नितू फुड्यांत येवन बसता आनी व्हवूच ताच्या तोंडातलें पांगरणें ओडटा. नितू, बाय उठ्ठा मु गो? च्या थंड जावन वयता पळय. उठ बेगीन. आगो, तुका फाल्यांच्या पेपराचो अभ्यास करूं नाका? आगो उठ मुगो! (नितूलें तोंड आपल्या हातांत धरता.)

नितू : आज्ञे ऽऽऽऽ (नितूची हांबेर कानांर पडून भितरल्यान विमल येवन नितू म्हऱ्यांत बसता.)

लिलाबाय : बाय .. बाय नितू, कितें जालें शाण्या? रडटा अशें? मम्मीन कितें म्हणलें तुका?

नित : ना .. ना...

लिलाबाय : मागीर रडटा कित्याक तूं अशें?

नितू : आज्ञे ... आज्ञे ... हे फुडें हांव त्या इश्कोलांत वच्चें ना.

लिलाबाय : इश्कोलांत वचें ना? तें गो बाये कित्याक?

नित : ना!

विमल : मागीर सांग तरी, कितें जालां तें.

नितू : (हुंडकेत) आज्ञे, आज्ञे, इश्कोलांत सगळीं भुरगीं म्हजो पप्पा बेबदो म्हूण चाळयतात म्हाका.

लिलाबाय : अशें ? ... अशें कोण म्हणटा तुका?

नितू : सगळींच भुरगीं म्हणटात गे. सुरवात सपनान केली. परिक्षेक तेचो नंबर म्हजे कुशीक पडला. पयल्या पेपरा दिसा आपणांक कांय प्रस्नांच्यो जापो दाखय म्हणून लागलें. हांवें दाखयल्यो नात म्हूण रागान , इश्कोल सुटनाफुडें सगळ्या भुरग्यांक 'नितूचो पप्पा बेबदो' म्हूण चाळोवंक लागलें. त्या दिसाच्यान भुरगीं म्हाका सद्दां चाळयतात.

लिलाबाय : बाय नितू, तीं भुरगीं जें कितें म्हणटात तेचेकडेन तूं लक्ष दिवं नाका शाण्या. तीं भुरगीं पिशीं.

विमल : फाल्यां सतीशकाका तुका व्हरपाक आयलो म्हणटकच सांगतां हांव

तेका ही सपनाची गजाल. तो सद्धीक निवळायतलो तेका आं!

नितू : नाका मम्मी, तूं सतीश काकाक हातुंतलें कांयच सांगों नाका. आनी हांवय आयच्यान सतीशकाकाबरोबर इश्कोलांत वचेंना.

लिलाबाय : कित्याक गो बाये?

नितू : सपना म्हणटा, आपल्या पप्पाले स्कुटरीर हांव कित्याक बसता काय म्हूण. आज्जे, म्हजो पप्पा आसतना म्हाका सद्दां इश्लोलांत पावयतालो न्हय गे? सोरो पिवन – पिवन तो देवागेर गेलो आनी भुरग्यांक आतां म्हर्जी फकाणां करूंक मेळ्ळी, न्हय गे?

विमल : बाये, तशें म्हणनात. आमी आसात न्हय आतां!

नितू : आज्ञे ... आज्ञे हांव मुंबय वयतां गे इश्लोलाक, मामी थंय.

लिलाबाय : कितें, मुंबय?

नितू : हय आज्ञे, फाल्यां म्हजो निमाणो पेपर.... तो जायना फुडें मागीर सुटी. मागीर म्हाका मुंबय व्हरुन पावयात मामागेर. हांव थंयच वयतां इश्कोलांत.

विमल : ना! ना! नितू ... तुका हांव खंयच वचूंक दिवचें ना. तूं मुंबय रावल्यार हांवें हांगा जगप कोणाखातीर?

नितू : मम्मी, म्हाका मामाले थंयच शाळेंत घाल गे. प्लीज, म्हज्या पप्पाक कोणेंय कितेंच म्हणिल्लें म्हज्यान आयकुपाक जायना गे मम्मी. आज्ञे ... आज्ञे तूं तरी सांग गे तिका.

लिलाबाय : बाय विमल, हें पळय तुजें काळीज कळटा गो म्हाका, पूण हो नितूच्या फुडाराचो प्रस्न आसा. ह्या असल्या वातावरणांत उरल्यार तेच्या शिकपाचेर आनी भलायकेचेर परिणाम जातलो. जशे घोटेरांतल्यान चूकून भायर पडिल्ल्या कावळ्याच्या पिलाक हेर सगळे कावळे चोंचावन मारतात न्हय, हय, तशेच हे लोक म्हज्या नितूक चोंचावन खातले गो!

विमल : तशें जाल्यार बरें आसा आई. तूं सांगता तशेंच करूंया.

नितू : आज्ञे, धाडटली न्हय गे म्हाका मामागेर?

लिलाबाय : रडूं नाका नितू, रडूं नाका बाय, धाडटां तुका हांव मामाले थंय इश्कोलाक.

नितू : म्हजी आजी ती! (लिलाबायक वेंग मारता. ल्हवू ल्हवू काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना परत शाळेचो वर्ग).

बाई : भुरग्यांनो, मागीर कितें जालें जाणांत? दुसऱ्या दिसा ताची परिक्षा सोंपतकर ताचे मम्मीन ताका मुंबय व्हरोन पावयलें.

: बाई, म्हाका पप्पान सांगलां, मे म्हयन्यात मुंबय व्हरतां म्हूण.

बाई : सांगलां मरे ? तर मुंबय वचून नितू थंयचे शाळेंत गेलें, उपरांत कॉलेजींत आनी बाई जालें.

: बाई, आता तें खंय आसता?

बाई : तुमकां सांगूक जाय?

: हय बाई.

बाई : तें आतां आमचेच शाळेंत आसा.

: आमचे शाळेंत ? आमचे शाळेंत खंय बाई?

बाई : मात्शी मुखार नदर मारात.

: मारली बाई.

बाई : कोण दिसली?

: बाई, ये बाईची काणी!

बाई : आवडली तुमकां काणी?

: हय बाई.

बाई : हे काणयेवयल्यान आमकां कितें धडो मेळ्ळो?

: कोणाकडेन झगडप ना!

: मस्ती करप ना!

: कोणाक चाळोवप ना!

: दादागिरी करप ना!

बाई : बरोबर ! आमी सगळीं एकवटान रावप, एककडेन खेळप, नाचप, शिकप. तुमी आतां प्रज्युक चाळयतलीं?

: ना बाई!

बाई : ताका फुड्यांत बसयतले काय ना?

:हय बाई!

: बाई, तुवें काल शिकयल्लें पद आयज परत घेता म्हणलेलें.

बाई : पद म्हणुंया तर?

: हय बाई.

बाई : चलात, उबीं रावात तर .(भुरगीं उबीं रावतात.)

म्हणात – भुरगीं आमी माणकुलीं......

(भुरगीं नाचत पद म्हणटात. ल्हवू ल्हवू पड्डो सकयल देंवता)

साधुबाबा की जय

साधूबाबा

पयलो शिश्य

दुसरो शिश्य

पयलो मनीस

दुसरो मनीस

एक बायल

निळू

तरनाटो

तिसरो मनीस

मावशी

काकी

रवळू

जानू

साधुबाबा की जय

(पड्ड्याभितर 'साधुबाबा की जय' हे तरेच्यो जायत्यो घोशणा आयकूंक येतात. धोल, ताशे, कांसाळी हांचो आवाज चालू आसा. एका साधु बाबाची पालखी माचयेर येता. दोनूयवाटांनी दोग शिश्य आनी लोक बाबांचो जयजयकार करीत तांच्या फाटल्यान येतात. बाबा झाडाच्या पेडार येवन बसता. लोक तांच्या पांयांर तकली दवरून पांय पडटात आनी कडेक उबे रावतात. बाबा सगळ्यांक हातान बसपाची कुरू करता. सगळे बसतात. बाबांचे शिश्य उलयतात. बाबा मदीं मदीं फकत हांसता.)

पयलो शिश्य : ओ गांववासीयों , आपका परमभाग्य है. हमारे बाबा केवल बाबा नहीं हैं! वे तो......

दुसरो शिश्य : प्रत्यक्ष भगवान हैं. शंकर , विष्णू और ब्रह्मा ये सब उनके सामने हाथ जोडकर खडे रहते हैं।

पयलो शिश्य : और देवी पार्वती, लक्ष्मी इनके आंगन की साफसफाई करती हैं और इनके घरमें पानी भरती हैं।

दुसरो शिश्य : बाबा क्या नही हैं? वे सब जानते हैं। भूत जानते हैं, वर्तमान जानते हैं और भविश्यकाल भी।

पयलो मनीस : हां. वो सब बरें आसा है. पूण आमको हिंदी नहीं कळटा है.

सगळे : हां ठीक सांगता है.

पयलो मनीस : आमको फकत कोंकणी भाशाच कळटा है. आमी सब कोंकणीच हैं. तेन्ना तुम कोंकणीच भाशा करो.

एक बायल : हय गो बाये! आमकां कोंकणीच सारकी समजतली. (सगळे कोंकणी उलयात, कोंकणी उलयात असो बोवाळ करतात. बाबा मुमुरखेच हांसतात. शिश्यांकडेन पळोवन हात हालोवन मंत्र म्हणटा.)

पयलो शिश्य : साधु बाबान आज्ञा केली, कोंकणी उलयात. आतां आमी कोंकणी उलयतात.

दुसरो शिश्य : बाबान फकत जादू करपाचो. बाबान जादू केले रे केलो. आमी खंयच्याय खिणांक खंयचीय भाशा कांय न्हय करून उलोवंक शकतात.

पयलो शिश्य : इंग्लीश, कन्नड, चिनी, पोतुगीज, इतलेंच न्हय मोडी भाशा लेगीत.

पयलो मनीस ....: मोडी भाशा ? ही आनी कसली भाशा?

दुसरो शिश्य : तुका अडाण्याक कितें कळटा तातुंतलें?

बायल : हो बाबा म्हणल्यार अजापूच मुगो बाये!

दुसरो मनीस : बाबान जादू केलो! हे दोगूय फटाफट कोंकणी उलोवंक लागले!

पयलो शिश्य : तर गांवकारांनो, आमच्या बाबान हिमालयांत वचून बारा वर्सां तप केलां. तेंवूय एक पांयार उबें रावन.

दुसरो शिश्य : हय आनी जेवणखाण , उदक बीन कांयच घेयनासतना. फकत वारो खावन रावले.

पयलो शिश्य : आनी तांकां सिद्धी मेळ्ळी. तुमची कसलीय नड आसुंदी. बाबा तातुंतल्यान तुमकां सोडयतलोच!

दुसरो शिश्य : रोग पीडा जावं, आलवातीण लागलेली आसूं नाजाल्यार सरकारी कामां आसूं.

पयलो शिश्य : साधुबाबांकेडन ताचेर रामबाण उपाय आसा.!

दुसरो शिश्य : कोणें कोणाचेर देवस्पण केलां.......

पयलो शिश्य : बाबा ताचेरच डाव उलटयतले!

दुसरो शिश्य : कोणालो भुरगो बरो ना...

पयलो शिश्य : बाबा ताका सडसडीत बरो करतलो!

दुसरो शिश्य : कोणाल्या म्हशीक दुद येयना........

पयलो शिश्य : बाबा, ते म्हशींचे कळसोभर दूद काडून दितले! कोणाल्या घरा वायट गजाली घडटात...

दुसरो शिश्य : बाबा त्यो बंद करतले!

पयलो मनीस : आवयस! बरो पावरफूल दिसता हो बाबा.

दुसरो मनीस : हे उलयतात ताजेवयल्यान तरी तशें दिसता.

तिसरो मनीस : तें सगळें खरें ! पूण आमी हांचेर विस्वास कसो दवरपाचो? कितें तरी चमत्कार करून दाखोवचो पडटलो. तसो दाखयलो जाल्यारूच आमी म्हणटले साधुबाबा पावरफूल आसा म्हूण. कितें म्हण्टा?

दुसरो मनीस : हय तर! तुमी कितें तरी चमत्कार करचोच पडटलो. 'बरोबर आसा. कितेंतरी चमत्कार जावंदी.' असो बोवाळ जाता. बाबा हात दाखोवन सगळ्यांक थंड करतात.)

बाबा : अज्ञ बालका! तुम हमारी परिक्षा लेना चाहता है?
(कोंकणी उलयात, कोंकणी उलयात असो बोवाळ.) बरें आसा, बरें आसा. आव बेटा, इधर आव. (एक मनीस मुखार येता.) आपका नाम?

: निळू काळू गांवकार.

बाबा : अच्छा ! बोल बेटा निळू, बाबाक कितें भीक घालतलो?

नीळू : कोण हांव? बाबा, हांव हांगा खाऱ्याक पादीशेर आनी म्हजेकडेन कसली भीक मागतात? म्हजेकडेन आतां फकत एक रुपयाच आसा. विडयेक जाय म्हूण सांबाळून दवरिल्लो . आतां मागताच जाल्यार हो घेयात. (एक रुपया दिता.)

बाबा : अज्ञ बालका, हांवें फकत तुजें मन पळयलें! हे घे तुजे पयशे परत (बाबा ताका पयशे परत दिता.)

निळू : आं! वीस रुपया ? बाबा, हांवें तुमकां एक रुपयाच दिल्लो.

पयलो शिश्य : घे निळू, बाबा तुजेर प्रसन्न जाल्यात. (निळू वीस रुपया घेता.)

बाबा : ये लो प्रसाद! (मुठीन जादू करून बाबा ताका कितें तरी दिता.)

निळू : शंबर रुपया आनी फुलां? म्हणात साधुबाबाकी....

सगळे : जय!

निळू : साधुबाबांचो....

सगळे : जय जावं.

दुसरो मनीस : बाबा, शेजाऱ्यालीं आनी म्हजीं शेताच्या बांदावयल्यान झगडीं जाल्यांत. (बाबा खीणभर वयर पळयतात.)

बाबा : फुडलें आनी कांयच सांगपाची गरज ना! तुगेलो तो शेजारी तुजेर देवस्पण करता. तुजें नांव पिड्ड्यार जावचें, तोंड काळें जावचें, गांवांत तुजी बदनामी जावची म्हणून तो शेजारी हें देवस्पण करता! तुमकां पळोवपाक जाय हाचें खरेपण?

सगळे : दाखय, दाखय बाबा!

बाबा : बाळक, असो हांगा यो. (दुसरो मनीस भियेत, भियेत फुडें वता. बाबा झोळयेंतल्यान बाटली आनी कपडो काडटा. मंत्र म्हणटा आनी बाटलेंतलें उदक हातांत घेवन त्या मनशाच्या तोंडार मारता) ये देख पसीना आ गया। इस पसीनेसे तुम्हारा मुँह काला हो जाता है। बेटा हो कपडो घ

आनी पूस तें तोंड! (तोंड पुसता. तोंड काळें जाता.)

दुसरो शिश्य : ये देखो, ये देखो चमत्कार! तेचें तोंड काळें जालें. बाबान सांगलेलेंच.

दुसरो मनीस : बाबा, म्हाका वाचयात! ना जाल्यार हांव कसोच जगना. म्हाका वाचयात.

बाबा : धीर धर बेटा. सब ठीक हो जायेगा. तूं फिकीर मत करना! (दोळे धांपता, उक्ते करता. वयर पळोवन हेवटेन तेवटेन हात हालयता. झोळयेंतल्यान बाटली काडून ताचेर उडयतनाच तातुंतल्यान धुंवर येता. तुवालो जळपाक लागता.)

दुसरो मनीस : बाबा, बाबा म्हजो तुवालो जळटा. म्हज्या हातांतल्यान कसली चूक घडल्या बाबा ?

बाबा : वोग्गी बस! तोंडांतल्यान एक लेगीत उतर काडूं नाका. पोरूं तुवें देवाक सांगणें केल्लें . तुजें काम जालें. पूण तुवें देवाली आंगवण पावोवंक ना!

दुसरो मनीस : बरोबर आसा बाबा. बरोबर आसा. पूण कितें करूं? पोर जोरान फडफडटा. आयज एक म्हयनो जालो जोर कसोच देंवना.

बाबा : कसो देंवतलो? तो ताप सादो न्हय. तुज्या पुताक भूत लागलां. ताका म्हासंमंधान धरला. म्हाभयंकर म्हासंमंध.
(इतल्यांत फाटल्यान एक तरनाटो येता.)

तरनाटो : साधू बाबा, भूत म्हणल्यार कितें ? आनी तें खंय आसता?

बाबा : नेणार बालका, तुका कांयच खबर ना, भूत म्हणल्यार कितें तें?

तरनाटो : ताका लागूनच म्हाकां पळोवपाक जाय, भूत म्हणल्यार कितें तें!

बाबा : बालक, तुका खबर आसा, तूं कोणाकडेन उलयता तें?

तरनाटो : हय, साधुबाबाकडेन.

पयलो शिश्य : तूं सादूबाबाक सारखो वखळना! बाबाचें रागणें पडल्यार...

दुसरो शिश्य : बाबा तुजो कोंबो करूंक शकता!

पयलो शिश्य : बोकड करूंक शकता!

तरनाटो : कर म्हणून सांग. पळोवया तरी कितें करता तो?

दुसरो शिश्य : गांवकारांनो, हाणें अशी आडखळ हाडली जाल्यार गांवाचेरूच हावळ येतली.....

पयलो शिश्य : मागीर कोण कांयच करूंक शकचो ना.

: बाबा, तेची चूक पोटांत घालात. तेका माफ करात बाबा.

दुसरो शिश्य : तशें जाल्यार ताका हांगसल्लो धांवडावचो पडटलो.

: आरे पापया, तूं चल पळोवया.

: हय. गांवांचेर आनी बेश्टें अरिश्ट नाका.

तरनाटो : आरे, पूण तुमी अशे कित्याक भियेता काय म्हणटां? अशें भूतबीन कोण आसना.

: तुका कळना तें, तूं वच पळोवया.

: हय वय ! (सगळे ताका धांवडावपाक वयतात.)

तरनाटो : बरें आसा! हांव आतां वतां पूण इतलेंच सांगून वतां कीं ह्या साधुबाबाचें खरें गुपीत हांव एक ना एक दीस तुमच्या मुखार उक्तें करतलोंच. येतां हांव. तरनाटो वता.)

: बाबा, त्या नेणार पोराचें मनार घेवं नाकात.

: हय बाबा.

दुसरो मनीस : बाबा, आतां म्हज्या पोराचें पळयात बाबा. म्हज्या पुताक वाचयात बाबा.

: हय बाबा, तेच्या आंगांतलें भूत काडून उडयात.

बाबा : बरें आसा. हे अमाशेक हांव तुगेल्या घरा येतां आनी तुज्या पोराच्या आंगांतलें भूत काडून उडयतां. त्या भुताक बाटलेंत भरतां आनी सोमतेंच जमनींत पुरून उडयतां. तूं कांयच भिरांत धरूं नाका.

: पूण बाबा, अमाशेक अजून आठ धा दीस आसात.

दुसरो शिश्य : तुमी कांयच भियोवं नाकात. बाबांक सगळें खबर आसा.

: पूण बाबा, तो मेरेन तुमी खंयच वचूं नाकात. हांगाच रावात.

: हय बाबा. ते मेरेन आमचीं सगळ्यांचीं अरिश्टां पयस करात. अमाशेक हेच्या पुतालें भूत काडात. म्हाप्रसाद करूंया. मागीर तुमी सुशेगाद दुसऱ्या गांवांक चलात. (बाबा आनी शिश्य तांचे भितर उलयतात.)

दुसरो मनीस : बाबा, ना म्हणों नाका. हांव तुमचे पांय कशेच सोडचों ना.

बाबा : ठीक है, ठीक है , तुमचो इतलोच मोग आसा, जाल्यार रावतात आमी हांगाच. जावंदी तुमच्या मनासारकें. (सगळे साधुबाबांचो जयजयकार करतात. काळोक जाता. उजवाड जाता तेन्ना कांय लोक गडबडीन वतात. तरनाटो तांकां आडोवपाचो यत्न करता. पूण सगळे

ताचें आयकनासतना वतात.)

तरनाटो : दादो, मात्सो राव मरे.

पयलो मनीस : ये, कडेन राव. पयलींच कळाव जाला. बाबाच्या दर्शनाक वचपाक जाय. (वयता,तिसरो मनीस येता.)

तरनाटो : भावडे, तूं तरी दादाक समजाय.

तिसरो मनीस : गाढव खंयचो. सर कडेक. आरे येदो व्हडलो बाबा गांवांक येयला. तेच्या दर्शना वचपाचें सोडून तुजेकडेन उलोवपाक वेळ कोणाक आसा?

तरनाटो : आरे पूण तो बाबा...

तिसरो मनीस : तूं आतां बरे भशेन कडेक रावता काय खर्चाक दिवचें पडटलें? (ताका धुकलून वयता. दोन बायलो येतात.)

तरनाटो : मावशे, काकी, मात्शी आयकयात गे.

मावशी : ये मेल्ल्या, कडेक सर.

काकी : हें आनी काळें मांजर येयले मदीं.

तरनाटो : मावशे, खंय वयतात तें तरी सांगात मुगे.

मावशी : आरे बाबा, आमी साधूबाबा म्हऱ्यांत वयतात. भांगराच्यो वस्तू दिवपाक. एक पवनाच्यो वस्तू बाबान धा पवनाच्यो करून दिता म्हणून सांगला.

काकी : आगो बाये. वेळ जातलो. त्या मेल्ल्यांक आनी कितें सांगता? (दोगांय वतात. इतल्यांत ताचो इश्ट रवळू येता. वचपाक लागता. तरनाटो ताका उलो मारता. तो वयता. तरनाटो ताका धरून हाडटा.)

तरनाटो : रवळू, कितें रे? तुवेंय म्हाका फटोवन वचप मुरे? आनी अशी म्हाका शेंडी लावन खंय वयतालो रे?

रवळू : कितें करतलो इश्टा, तूं सुशेगाद रावला. हांगा आमचे जातात हाल.

तरनाटो : कित्याक रे? कितें जालां तें तरी सांग मरे?

रवळू : हांव आनी कितें सांगतलों? आख्खो गांव त्या साधूबाबाच्या फाटल्यान धांवता. तो बाबा म्हणल्यार खूब व्हडलो येगी जावन आसा. कोणाक वखद दिता, कोणालें भूत काडटा, कोणाले शंबर रुपयांचे सोमतेच हजार करून दिता. चितलें, हांवेंय पळोवपाचें काम जाता जाल्यार. पांचशीं रुपयांचे पांच हजार रुपया करून दिता म्हूण सांगल्यात.

तरनाटो : आनी हें सगळें तुका खरें दिसलें.

खळू : म्हणल्यार ? म्हाका समजलें ना.

तरनाटो : आरे पिशा, हें सगळें फट.

खळू : फट ? तें आनी कशें?

तरनाटो : आरे बाबा, ही सगळी हातचलाखी. नजरबंदी. संमोहन विद्येचो असो वायट उपेग करून तो बाबा लोकांक नाडटा. अशे जर एका रुपयाचे धा रुपया जाल्ले जाल्ल्यार हो साधूबाबा असो कित्याक हांगा थंय हेडटा आशिल्लो? स्वताच्या घरांत सुशेगाद बसून तो नोटींच्यो राशी घालचो नाशिल्लो? म्हाका जाल्यार ह्या बाबाचो सामको दुबाव मारता.

खळ : कसलो दुबाव?

तरनाटो : आमी ज्या फरारी आरोपीविशीं सुनापरान्तांत खबर वाचिल्ली तेच हे आरोपी काय म्हूण?

खळू : बरोबर आसा. पूण हो विचार म्हजे तकलेंत मात् लेगीत आयलो ना पळय. पूण आतां हें खरें फट कशें सोदून काडपाचें?

तरनाटो : खळू, आयडिया! काट्यान काटो काडपाचो.

खळू : म्हणल्यार, कितें करपाचें?

तरनाटो : तुवें तुजे नोटींचे नंबर बरोवन दवरप. गरज पडल्यार पुलीसांकय आपोवया. तूं वच साधूबाबा म्हऱ्यांत. सांग, हाचे पांच हजार करून दी म्हूण. मुखार कितें करपाचें तें हांव पळयतां. (ताच्या कानांत फुतफुतता). मागीर थरलें मरे? फाल्यांच अमास आसा, म्हणटकीर आमचें काम सारकें जातलें.

खळू : हय! तो फाल्यां दादूल्या चेड्यावयलें भूत काडपाक येवपाचो आसा.

तरनाटो : तेन्नाच ताचें पेपारें वाजोवया. गांवच्या लोकांचे मानेचेर बसलेलें भूतय फाल्यां काडपाचें थरलें?

खळू : आरे थरलें आनी म्हूण विचारता? पूण सगळें कितें व्यवस्थित जावपाक जाय. नाजाल्यार सगळी गडबड जातली. ताका दुबाव मारल्यार तो पळोन वचत म्हणून भंय.

तरनाटो : तूं मात लेगीत काळजी करूं नाका. तें सगळें हांव ज्युस्ताज्युस्त उडयतां. (वतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना झाडाच्या पेडार बसून साधुबाबा कोणाची तरी वाट पळयता. ताचो शिश्य येता तो पॅन्ट, शर्ट ह्या भेसांत आसता.)

बाबा : आरे जानू, कितलो वेळ वाट पळोवप रे तुजी? येवपाक कळाव कित्याक जालो?

जानू : बॉस, सगळो माल गाडयेर चडयता म्हणसर वेळ जालो. सगळें सारकें जाग्यार उडोवन येयलां. गाडये बरोबर रघूक धाडला.

बाबा : बरें जालें! पूण तेका सगळी चत्राय दिल्या मरे?

जानू : हय बॉस. माल खंय देंवोवपाचो तें सगळें तेका सारकें सांगलां.

बाबा : आनी भांगराच्या वस्तींचें कितें केला?

जानू : त्यो सगळ्यो मडगांव व्हरोन सोमत्योच शेटीक विकून उडयल्यो.

बाबा : आनी पयशे?

जानू : बॉस, पयशे सध्याक आमी रावतात त्या हॉटेलांत दवरल्यात. फाल्यां वयतना घेवन वचपाचे.

बाबा : पूण आमकां फाल्यां रातचेंच वयचें पडटलें. हांगसल्ल्या कांयजाणाक आमचो दुबाव येवपाक लागला अशें म्हाका दिसता. मुंबय वचपाक गाडी कितल्यांक आसा ती पळय आनी म्हाका फोन कर. हांव तुका थंयच मेळटां.

जानू : बरें बॉस. हांव तुमकां दरवट्याकडेन रावतां. (काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना माचयेर दादूलें घर दिसता. लोक आंगणात बसल्यात. पिडेस्त भुरग्याक धरून रावल्यात. साधूबाबा, तांचे शिश्य. मदीं गुलाल, बाटली , लिंबू ,तांदूळ, फुलां धूप अशें सगळें सामान मांडला. साधूबाबाचेर भार येता.)

बाबा : (भाराचेर) आग्या वेताळ खंकाळ, वंकाळ. हेच झाड तुवें कित्याक धल्लां?

भुरगो : आरे म्हाका सोडात.

बाबा : उलय, तुवें हें झाड कित्याक धरलां? (ताच्या आंगार तांदूळ शेवटिता) काली काली महाकाली, तोड दुश्मनकी नली. उलय, झाड सोडटा काय ना?

भुरगो : हांवें कितें केला? म्हाका सोडात रे.

बाबा : पयलीं झाड सोड. (हातांतल्यान बेतान भुरग्याक मारता. भुरगो सकयल पडटा. तरी आसतना ताचें मारप चालूच आसता.)

दुसरो मनीस : बाबा, तुमकां पायां पडटां. म्हज्या पोराक मारूं नाकात.

बाबा : पयस राव. आनी मात्शें उल्लां. भूत कशें वचना तेंच पळयतां. आयजमेरेन असलीं शेकड्यांनी भूतां ह्या साधूबाबान धांवडायल्यात. परत भार काडटा. भुरग्याक परत मारता. भुरगो बेसूद जाता.)

पयलो मनीस : आरे, चेडो थंड पडलो. भूत गेलें दिसता. (भुरग्याक उठोवपाचो यत्न करतात. पूण भुरगो मान उडयता. सगळे भितात.)

तिसरो मनीस : आरे, चेड्याक पळयात. थंड पडला. कितें तरी गडबड जाल्या.

पयलो मनीस : आरे कांदो हाडात बेगीन. तोंडार इल्लें उदक मारात. (बोवाळ वाडत वयता. साधुबाबा आनी ताचे शिश्यय भितात. कांदो लायलो तशेंच उदक माल्लें तरी कांयच हालचाल जायना .)

दुसरो मनीस : आरे म्हज्या शाण्या, आरे दोळे उक्ते कर रे बाबा, आरे पोरा, बेगीन सावशीत जा रे...

तिसरो मनीस : शेः ! कांयच हालचाल ना. हातांतलो गेलो दिस्ता चेडो.

दुसरो मनीस : (रडत) आरे म्हज्या देवा, अशें कशें जालें रे? म्हज्या भांगरासारक्या पोराक माल्लो रे.

(तरनाटो, रवळू आनी कांय भुरगे येतात.)

तरनाटो : कितें जालें? कोणें माल्लो चेड्याक?

दुसरो मनीस : ह्या ह्या चंडाळान घात घेतलो म्हज्या पोराचो.

पयलो मनीस : चेड्याक भूत लागला म्हूण सांगपाक लागलो.

तिसरो मनीस : हाणें चेड्याक बडयला. चेडो रडटालो, पूण हो ताचें कांयच आयकनासतना तेका मारीत रावलो.

पयलो मनीस : पळय, पळय, बेतां उदेल्यांत चेड्याल्या आंगार.

दुसरो मनीस : चेडो काकळुटेक येवन पांयां पडटालो. पूण हाणें ताचें कांयच आयकोंना. चेड्याक माल्लो रे ह्या राकेसांनी. (हें सगळें पळोवन साधुबाबा आनी शिश्य पळपाक पळयतात.)

तरनाटो : रवळू, धर तांकां.

(दोग तीग जाण तांकां धरतात. तरनाटो भुरग्या म्हऱ्यांत वता ताची नाडी आनी दोळे पळयता.)

दुसरो मनीस : म्हज्या चेड्याक माल्लो रे ह्या चांडाळान.

तरनाटो : ए, वोग्गी राव. बेश्टोच रडों नाका. आजून हुनसाण आसा. पूण कळाव करूंक उपकारना. चला. हाका गाडयेंत घालून हॉस्पिटलांत व्हरात.

आमीय फाटोफाट येतात. (कांयजाण भुरग्याक घेवन वयतात.)

दुसरो मनीस : म्हज्या वंशाचो दिवो पालवलो रे देवा!

तरनाटो : कांयच पालवना. मात्सो धीर धर.

(ह्या बोवाळांत बाबा आनी शिश्य पळपाचो यत्न करतात. पूण तरनाटो आनी बाकीचे तांकां धरतात.) ये ढोंग्या, आतां खंय पळटा?

बाबा : सोड म्हाका. हांवें हाच्या भुरग्याचें भूत काडलां. म्हजें काम जालें. वयतां आतां.

रवळू : खंय वयता रे चोरा, उलय कोणाकोणाल्यो भांगराच्यो वस्ती फारयल्यात?

तरनाटो : उलय, कोणाकोणाल्यो नोटी डबल करून दिता म्हूण तांकां नाडलां?

रवळू : त्या धर्मूल्या चेडवाक तुवेंच माल्लें काय ना? उलय, कितें केलां तेचें?

तरनाटो : ह्या चेड्याल्या आंगांतलें भूत काडटा म्हूण तुवेंच ताका माल्लें काय ना?

रवळू : उलय. खाड वाडोवन, भगवे कपडे घालून लोकांक फटयतात?

तरनाटो : तुमी बंदखणीतल्यान फरारी जाल्ले आरोपी आसात काय ना? आतां तुमी आमच्या हातांतल्यान कशेच सुटपाचे नात. आरे पळयतात किते? मारात चोरांक. (लोक साधूबाबाक आनी शिश्यांक मारूंक वयतात. इतल्यांत पड्डो पडटा.)

नाळे बा

पांडू

भोगू

शाणू

विठू

गोपी

मनीस

WORLD KONKANI CENTRE

नाळे बा

(थळ : गांवच्या तिट्यावयलें झाडाचें पेड. पेडाचेर एकेवाटेन मारुतीची ल्हानशी घुमटी. निकतीच सकाळ जाल्या. गांवचे कांय लोक उलयत बसल्यात.)

पांडू : आरे विठू, आयज तूं बेगीन ऽसो रे ! सकाळीं फुडें पोदेराक मेळपाक येयल्लो काय कितें रे?

भोगू : पोदेराकऽसो मेळपाक कित्याक रे ?

शाणू : कित्याक म्हणल्यार? मडक्याचो नंबर विचारपाक . रातीं बरे लायल्या आसतले.

विठू : रातीं पांच ओपन आयकोन सात क्लोजाचेर पन्नास रुपया लायलेले. पूण सगळे फुकट गेले.

शाणू : क्लोज कितें येयलो तर रे?

विठू : आठ येयलो .

शाणू : तशें जाल्यार म्हजो दीस बरो गेलो.

पांडू : कित्याक रे? तुगेलें आसा काय कितें?

शाणू : हय, पांच रुपया आसात अठ्ठावनाचेर.

भोगू : आयज पार्टी आसा तर!

पांडू : भोगू, तू फकत लोकांच्यो पार्ट्यो खा. तुज्या हातांतल्यान कोणाक कांयच सुटपाचें ना.

शाणू : गोपी बाब, तूं वोग्गीसो. तुका कांयच नाका काय कितें?

गोपी : आरे, मेळ्ळ्यार कोणाक नाका जालां? आयज पुंडलीकाक पेपर घेवन येवपाक कळावसो जालो मरे !

पांडू : रातीं नाटकाचें जागरण बी जालां आसतलें.

भोगू : हो पळय येयलो पुंडलीक.

गोपी : शाणू चल मरे, पेपर घेवन यो. (शाणू वयता.)

भोगू : हय, पळोवया तरी आयज पेपराचेर कितें नविदाद येयल्या ती.

शाणू : (पेपर हाडटा) घे गोपीबाब.

(गोपी पेपर घेवन वाचूंक सुरवात करता.)

विठू : आयज कितें आसा वाचपासारकें?

पांडू : आरे गोपीबाबाक वाचूंदी तरी तें सारकें मागीर सांगतलो तो आमकां.

विठू : पूण हांवें कितें म्हणलां ? वाचपासारकें कितें आसा इतलेंच विचारलां.

पांडू : आरे, पूण तें वाचिनासतना कशें कळटलें? पयलीं वाचूंक जाय. मागीर कळटा, वाचपासारखें आसा काय ना तें.

विठू : तूं चड शाणो म्हूण खबर आसा म्हाका. गोपीबाब फकत वयलीं व्हडलीं – व्हडलीं अक्षरां पळोवन रोकडोच सांगता, वाचपासारकें आसा काय ना तें. तुका कळना जाल्यार वोग्गी बस.

पांडू : आरे ऽऽऽ तूं ! नेट कोणाक सांगता रे?

शाणु : गोपीबाब, तूं वाच पळोवया. हेंगेलीं झगडीं सदांचींच.

सगळे : हय, हय, वाच.

गोपी : (पेपर वाचता.) दिल्ली .... पार्टीचें सरकार.

: हें नाका, दुसरें कितेंय वाच. राजकारणाचो सामको वीट येयला.

गोपी : अमेरिकेची इराकाचेर घुरी.

: हे तसलें नाका. आनी कितेंय बरें आसल्यार पळय.

गोपी : आरे! हें आनी कितें?

: कितें जालें गोपीबाब ?

गोपी : राव, सांगतां. (सारकें वाचले उपरान्त) आरे, व्हडलें अजाप घडलां.

: कित्याक ? कितें जालें ?

गोपी : नाळे बा सुटलां खंय गरे. आतां सगळ्याक भोंवत आसा खंय.

सगळे : नाळे बा! कोण नाळे बा ?

गोपी : सगळें खबर आसा म्हणटात मरे तुमी आनी नाळे बा कोण तो खबर ना तुमकां?

: ना गोपीबाब, कोण हो नाळे बा?

गोपी : नाळे बा म्हणल्यार एक भूत. सगळ्याक पावता खंय भोंवत, भोंवत.

: आं?

गोपी : हय.

: गोपीबाब, बातमी मात्शी सारकी वाच पळोवया.

गोपी :(वाचता) मुळगांवां ह्या दिसांनी अकस्मात रातचो नाळे बा भोंवपाक

लागला. बऱ्याच वर्सांपयलीं एका साधुन बाटलेंत बंद करून दवरिल्लो. पूण तितुंतल्यांन तो निकतोच भायर सरलो. कसो भायर सरलो तेविशीं कांयच खबर ना. एखादो वेळ बाटली फुटली आसतली वो बाटलेचें बूच सुटलें आसतलें. तो रातचो लोकांक उलो मारीत भोंवता. जो कोण ताच्या उल्याक जाप दिता ताका तो उबारून व्हरता आनी मारता. घराचेर नाळे बा बरयल्यार तो घराकडेन येना अशेंय जाणकार सांगतात. तो खंयच्याय वेळार खंयय पावता. ते खातीर सगळ्याक भिरांत पातळ्या.

: शिरोड्या पावलो रे हो नाळे बा?

: ना पावपाक कितें जालां? आमच्या गांवाक म्हणोन सोडटलो काय कितें तो?

: केन्ना येतलो तो?

गोपी : दिसाक तीस किलोमीटर म्हणल्यार मुळगांवासावन हांगा पावपाक तीन दीस लागतले. ही बातमी सोमाराची. आयज बिरेस्तार म्हणल्यार तीन दीस जावन गेले. आयज तो हांगा पावोंक शकता.

सगळे : आयज?

गोपी : हय, आयज लेगीत हांगा येवंक शकता. कांयच सांगूंक येयना.

: मागीर ? आतां कितें करप?

गोपी : आरे, भिता कित्याक? तीनसांज जावपाक आजून खूब वेळ आसा. ताचे पयलीं दाराचेर नाळे बा बरोवन दवरतां.

: हय.

: दारां, जनेलां सारकीं बंद करात आनी वोग्गी घरांत बसात.

: आतां?

: सामको येंडो मुरे तूं! आतां खंयचें? काळोख जातकर.

: बरें, कळ्ळें.

: आनी कोणेंय उलो मारल्यार कितें करतलो?

: आरे, तेतूंत व्हडलेंशें कितें? हांव भितरल्यान सांगतलों हांव घरांत ना म्हूण.

: कितें पिशेपणां उलयता? मात लेगीत उलोवंक जायना.

: बरें बरें.

: हें प्रकरण पुलीसांकडेन सोपयल्यार कशें?

: आरे, भुतामुखार पुलिस कितें करतले?

: मागीर, आतां कितें करप?

गोपी : हें पळयात, ही सगळी गजाल गांवच्या लोकांक सांगात. आनी सगळ्यांक दाराचेर नाळे बा म्हूण बरयात म्हणूनय सांगात.

: हय. नाजाल्यार आख्या गांवाचेर हावळ येतली.

: जाता तितले बेगीन सगळ्यांनी न्हिदपाचें.

: आनी गोपीबाब, ल्हान भुरग्यांचें कितें?

गोपी :तेंच्या तोंडाक कपडो बांदपाचो.

:हय हय, तशेंच करुंया.

गोपी : आरे पूण शाणू, तूं कित्याक वगी? तुजें कितें जालें? तुवें कांयच विचारलें ना मरे?

शाणू : कांय ना, मजा पळयतालों तुमची.

: कसली मजा?

शाणू : कोण तो ? नाळे बा. तो येता म्हणटकीर तुमची भियोवन कशी गुळी जाली ती पळयतालो.

: म्हणजे तुका भिरांत दिसों ना?

शाणू :छॅट! सद्दां जिमान वयता मरे हांव. सदांच हांगा ह्या पेडार न्हिदतां. देव सोडून हांव कोणाक भियेना.

: नाळे बा क लेगीत?

शाणू :नाळे बाक कित्याक ? व्हडलें भूत जालें म्हूण हांव खंय भितां! येयल्यार येवं. म्हाका कितें करतलें?

: म्हणजे शाणू, आयज तूं घराचेर नाळे बा बरोवचो ना?

शाणू : ना.

: घरांत न्हिदतलो तर?

शाणू :सदचेभाशेन हांव हांगाच न्हिदतलों.

: आरे बाबा चड शाणेपणां करून नाका. सगळ्यांचें आयक. दोन दीस घराकडेन न्हीद.

शाणू : हांव हांगा न्हिदतलों म्हणल्यार न्हिदतलों. म्हजें कितें जाता तें जावनी. तेचें तुमकां कांयच पडून वचूंना.

: तूं स्वताक इतलो बळीश्ट समजता काय कितें?

शाणू : हय.

: नाळे बान बडयतकर कळटलें.

शाणू : बडोवनी.

: तशें जाल्यार तुका जाय तें कर. तुजेर मस्णात वचपाचो खेव येयला, तेका कोण कितें करतंलो?

: तेका जायतें करूंदी . चला, आमी गांवांक सगळ्या लोकांक सांगोंया. (सगळे वतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना शाणू न्हिदलेलो दिसता. खंयचो तरी चलपाचो आवाज आयकून जागो जाता. ल्हवू ल्हवू आवाज लागीं येता. मुखार पेडार कोणतरी येवन बसता. नाळे बा समजून शाणू ताका मारपाक वता. दोगांमदीं झगडीं जातात. दोगूय आरड मारतात. तो शाणूक भरपूर बडयता. सोसूं नजो जावन शाणू व्हडल्यान बोब मारता.)

शाणू : आरे, कोण तरी पावात रे. म्हाका मारलो रे! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू, आरे म्हाका वाचयात रे. (तो पळटा, शाणू बेसूद पडटा. काळोख जाता. (उजवाड जाता तेन्ना ल्हवू ल्हवू सावशीत जावन परत आपल्या जाग्यार आड पडटा. इतल्यांत गोपी येता.)

गोपी : शाणू, हे शाणू! आरे कितें जाला रे? सगळ्या आंगाक मार लागला मरे तुका. विठू, पांडू, आरे बेगीन येयात रे.

: शाणू, कितें जालें रे?

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001187

शाणू : नाळे बा.

: तेचें कितें जालें?

शाणू : राती हांगा येयल्लो.

: मागीर कितें जालें?

शाणू : हांवें तेका पयलीं बरोच बडयलो. मागीर तेणें म्हाका शेपलायलो. मात् लेगीत आंग हालोवंक जायना.

: तुका आमी पयलीं सांगलेलें, हांगा न्हिदों नाका म्हूण.

शाणू : आरे, नाळे बा न कसली गरड घातली रातीं हांव जाल्यार सामको भिला. गोजडी घेवन वोग्गी न्हिदलों.

: आनी उले कसले मारतालो! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू . असो आरडटालो.

: बरें जालें, कोणेंच जाप दिली ना म्हणून. ना जाल्यार आमची धडगत नाशिल्ली.

: हांव जनेलांतल्यान खाचींतल्यान रातभर पळयतालों. निमाणें दिसलो म्हाका. कसलो आशिल्लो जाणां? शे ! आजूनय भंय दिसता.

: खरेंच नशीब बरें म्हणून वाचलो शाणू. तेंवूय बीन देवाचे सासायेक लागून.

: हय तर, नाजाल्यार 'नाळे बा' तेका कसोच सोडचो नाशिल्लो.

गोपी : चल रे उजवाती पुडो आनी नाल्ल घेवन यो. देवामुखार फोडुया. (सांगणें करतात आनी उजवाती लावन नाल्ल फोडटात. इतल्यांत एक मनीस येता.)

: खंयच्यान येयला?

मनीस : बोरयेच्यान येयलां.

: बेश्टोच काय कोणाक मेळपाक?

: देवाक नाल्ल फोडपाक जाय आशिल्लो.

: कितें जालां तर नाल्ल फोडपासारकें?

मनीस : म्हज्या व्हडल्या भावालो चेडो सकाळच्यान जोरान फडफडटालो. आतां मात्सो बरो आसा. तेका लागून येयल्लों.

: तेका कितें जालें तर अकस्मात?

मनीस : नाळे बा लागलो.

: नाळे बा? तेणें कितें केलें?

मनीस : बरोच धोंपटिलो. आरे कितें सांगों, तेका आसा न्हिदेंत चलपाची संवय. नाळे बा येतलो म्हणटकीर सगळे दारां धापून न्हिदले.

: मागीर कितें जालें?

मनीस : मागीर आनी कितें ? हेणें खिळी काडली, दार उक्तें केलें आनी चलत गेलो.

:खंय?

मनीस : हांगाच येयलो न्हय, हांगाच येवन बसलो.

: आं? मागीर ? फुडें कितें जालें?

मनीस : फुडें आनी कितें जातलें? रातच्या बारांक सुमार हो हांगा न्हिदेंत येवन बसलो. भुताचो वेळ तो. नाळे बा हांगाच खंयतरी आशिल्लो. तेणें हल्लो करून बरोच पेटयलो. मागीर, हो जागो जालो.

: फुडें कितें जालें?

मनीस : तो पयलीं भिलो. पूण मागीर तेणें नाळे बा क बरोच बडयलो आनी तसोच घरा धांवलो. (सगळे तोंड आं करून पळयतात. इतल्यांत पड्डो पडटा.)

शाणू : हय.

: नाळे बान बडयतकर कळटलें.

शाणू : बडोवनी.

: तशें जाल्यार तुका जाय तें कर. तुजेर मस्णात वचपाचो खेव येयला, तेका कोण कितें करतंलो?

: तेका जायतें करूंदी . चला, आमी गांवांक सगळ्या लोकांक सांगोंया. (सगळे वतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना शाणू न्हिदलेलो दिसता. खंयचो तरी चलपाचो आवाज आयकून जागो जाता. ल्हवू ल्हवू आवाज लार्गी येता. मुखार पेडार कोणतरी येवन बसता. नाळे बा समजून शाणू ताका मारपाक वता. दोगांमदीं झगडीं जातात. दोगूय आरड मारतात. तो शाणूक भरपूर बडयता. सोसूं नजो जावन शाणू व्हडल्यान बोब मारता.)

शाणू : आरे, कोण तरी पावात रे. म्हाका मारलो रे! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू, आरे म्हाका वाचयात रे. (तो पळटा, शाणू बेसूद पडटा. काळोख जाता. (उजवाड जाता तेन्ना ल्हवू ल्हवू सावशीत जावन परत आपल्या जाग्यार आड पडटा. इतल्यांत गोपी येता.)

गोपी : शाणू, हे शाणू! आरे कितें जाला रे? सगळ्या आंगाक मार लागला मरे तुका. विठू, पांडू, आरे बेगीन येयात रे.

: शाणू, कितें जालें रे?

शाणू : नाळे बा.

: तेचें कितें जालें?

शाणू : राती हांगा येयल्लो.

: मागीर कितें जालें?

शाणू : हांवें तेका पयलीं बरोच बडयलो. मागीर तेणें म्हाका शेपलायलो. मात् लेगीत आंग हालोवंक जायना.

: तुका आमी पयलीं सांगलेलें, हांगा न्हिदों नाका म्हूण.

शाणू : आरे, नाळे बा न कसली गरड घातली रातीं हांव जाल्यार सामको भिला. गोजडी घेवन वोग्गी न्हिदलों.

: आनी उले कसले मारतालो! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू . असो आरडटालो.

: बरें जालें, कोणेंच जाप दिली ना म्हणून. ना जाल्यार आमची धडगत नाशिल्ली.

: हांव जनेलांतल्यान खाचींतल्यान रातभर पळयतालों. निमाणें दिसलो म्हाका. कसलो आशिल्लो जाणां? शे ! आजूनय भंय दिसता.

: खरेंच नशीब बरें म्हणून वाचलो शाणू. तेंवूय बीन देवाचे सासायेक लागून.

: हय तर, ,नाजाल्यार 'नाळे बा' तेका कसोच सोडचो नाशिल्लो.

गोपी : चल रे उजवाती पुडो आनी नाल्ल घेवन यो. देवामुखार फोड्या. (सांगणें करतात आनी उजवाती लावन नाल्ल फोडटात. इतल्यांत एक मनीस येता.)

: खंयच्यान येयला?

मनीस : बोरयेच्यान येयलां.

: बेश्टोच काय कोणाक मेळपाक?

: देवाक नाल्ल फोडपाक जाय आशिल्लो.

: कितें जालां तर नाल्ल फोडपासारकें?

मनीस : म्हज्या व्हडल्या भावालो चेडो सकाळच्यान जोरान फडफडटालो. आतां मात्सो बरो आसा. तेका लागून येयल्लों.

: तेका कितें जालें तर अकस्मात?

मनीस : नाळे बा लागलो.

: नाळे बा? तेणें कितें केलें?

मनीस : बरोच धोंपटिलो. आरे कितें सांगों, तेका आसा न्हिदेंत चलपाची संवय. नाळे बा येतलो म्हणटकीर सगळे दारां धापून न्हिदले.

: मागीर कितें जालें?

मनीस : मागीर आनी कितें ? हेणें खिळी काडली, दार उक्तें केलें आनी चलत गेलो.

:खंय?

मनीस : हांगाच येयलो न्हय, हांगाच येवन बसलो.

: आं? मागीर ? फुडें कितें जालें?

मनीस : फुडें आनी कितें जातलें? रातच्या बारांक सुमार हो हांगा न्हिदेंत येवन बसलो. भुताचो वेळ तो. नाळे बा हांगाच खंयतरी आशिल्लो. तेणें हल्लो करून बरोच पेटयलो. मागीर, हो जागो जालो.

: फुडें कितें जालें?

मनीस : तो पयलीं भिलो. पूण मागीर तेणें नाळे बा क बरोच बडयलो आनी तसोच घरा धांवलो. (सगळे तोंड आं करून पळयतात. इतल्यांत पड्डो पडटा.)

शाणू : हय.

: नाळे बान बडयतकर कळटलें.

शाणू : बडोवनी.

: तशें जाल्यार तुका जाय तें कर. तुजेर मस्णात वचपाचो खेव येयला, तेका कोण कितें करतंलो?

: तेका जायतें करूंदी . चला, आमी गांवांक सगळ्या लोकांक सांगोंया. (सगळे वतात. काळोख जाता. उजवाड जाता तेन्ना शाणू न्हिदलेलो दिसता. खंयचो तरी चलपाचो आवाज आयकून जागो जाता. ल्हवू ल्हवू आवाज लागीं येता. मुखार पेडार कोणतरी येवन बसता. नाळे बा समजून शाणू ताका मारपाक वता. दोगांमदीं झगडीं जातात. दोगूय आरड मारतात. तो शाणूक भरपूर बडयता. सोसूं नजो जावन शाणू व्हडल्यान बोब मारता.)

शाणू : आरे, कोण तरी पावात रे. म्हाका मारलो रे! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू, आरे म्हाका वाचयात रे. (तो पळटा, शाणू बेसूद पडटा. काळोख जाता. (उजवाड जाता तेन्ना ल्हवू ल्हवू सावशीत जावन परत आपल्या जाग्यार आड पडटा. इतल्यांत गोपी येता.)

गोपी : शाणू, हे शाणू! आरे कितें जाला रे? सगळ्या आंगाक मार लागला मरे तुका. विठू, पांडू, आरे बेगीन येयात रे.

: शाणू, कितें जालें रे?

शाणू : नाळे बा.

: तेचें कितें जालें?

शाणू : राती हांगा येयल्लो.

: मागीर कितें जालें?

शाणू : हांवें तेका पयलीं बरोच बडयलो. मागीर तेणें म्हाका शेपलायलो, मरे लेगीत आंग हालोवंक जायना.

: तुका आमी पयलीं सांगलेलें, हांगा न्हिदों नाका म्हूण.

शाणू : आरे, नाळे बा न कसली गरड घातली रातीं हांव जाल्यार सामको भिला. गोजडी घेवन वोग्गी न्हिदलों.

: आनी उले कसले मारतालो! गोपीबाब, पांडू, भोगू, विठू .. असो आरडटालो.

: बरें जालें, कोणेंच जाप दिली ना म्हणून. ना जाल्यार आमची धडगत नाशिल्ली.

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी ग्रंथालय
1373

: हांव जनेलांतल्यान खाचींतल्यान रातभर पळयतालों. निमाणें दिसलो म्हाका. कसलो आशिल्लो जाणां? शे ! आजूनय भंय दिसता.

: खरेंच नशीब बरें म्हणून वाचलो शाणू. तेंवूय बीन देवाचे सासायेक लागून.

: हय तर, नाजाल्यार 'नाळे बा' तेका कसोच सोडचो नाशिल्लो.

गोपी : चल रे उजवाती पुडो आनी नाल्ल घेवन यो. देवामुखार फोड्डुया. (सांगणें करतात आनी उजवाती लावन नाल्ल फोडटात. इतल्यांत एक मनीस येता.)

: खंयच्च्यान येयला?

मनीस : बोरयेच्यान येयलां.

: बेश्टोच काय कोणाक मेळपाक?

: देवाक नाल्ल फोडपाक जाय आशिल्लो.

: कितें जालां तर नाल्ल फोडपासारकें?

मनीस : म्हज्या व्हडल्या भावालो चेडो सकाळच्च्यान जोरान फडफडटालो. आतां मात्सो बरो आसा. तेका लागून येयल्लों.

: तेका कितें जालें तर अकस्मात?

मनीस : नाळे बा लागलो.

: नाळे बा? तेणें कितें केलें?

मनीस : बरोच धोंपटिलो. आरे कितें सांगों, तेका आसा न्हिदेंत चलपाची सवय. नाळे बा येतलो म्हणटकीर सगळे दारां धापून न्हिदले.

: मागीर कितें जालें?

मनीस : मागीर आनी कितें ? हेणें खिळी काडली, दार उक्तें केलें आनी चलत गेलो.

: खंय?

मनीस : हांगाच येवलो न्हय, हांगाच येवन बसलो.

: आं? मागीर ? फुडें कितें जालें?

मनीस : फुडें आनी कितें जातलें? रातच्या बारांक सुमार हो हांगा न्हिदेंत येवन बसलो. भुताचो वेळ तो. नाळे बा हांगाच खंयतरी आशिल्लो. तेणें हल्लो करून बरोच पेटयलो. मागीर, हो जागो जालो.

: फुडें कितें जालें?

मनीस : तो पयलीं भिलो. पूण मागीर तेणें नाळे बा क बरोच बडयलो आनी तसोच घरा धांवलो. (सगळे तोंड आं करून पळयतात. इतल्यांत पड्डो पडटा.)

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY 1373

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : नमन
(एकांकी)
Naman
(One Act Play)

YEAR : 2004

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.

2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

पोकू काशिनाथ नायक

जल्मदीस : २९ जानेवारी १९६२

जल्मस्थळ : तरवळें – शिरोडें, गोंय

शिक्षण : बी. कॉम्. बी.पी.एड्.

लेखन : १९९० वर्सासावन लेखनाक आरंब. आपउलोवपां बरोवन लेखनाक सुरवात. कांय एकांकी गोवा कला अकादमी आयोजित विद्यालयीन एकांकी सर्तींनी सादर जाल्यात. लेखानवांगडा समाजीक आनी संस्कृतीक कार्यावळींनी वांटो घेवपाची आवड.

इनामां : गोवा कला अकादमी आयोजित एकांकी सर्तींत 'भुरगींपणां देव जाणां' आनी 'गीत गावंया सैमाचें,' ह्या दोनूय एकांकींक लेखनाचीं दुसरीं इनामां जाल्यार 'नमन' 'गीत गावंया सैमाचें' आनी 'साधुबाबाकी जय' ह्या एकांकींक दिग्दर्शनाचीं दुसरीं इनामां फावो जाल्यांत. तशेंच गोंय पांवड्याचेर हेर साबारकडेन इनामां फावो जाल्यांत.

व्यवसाय : १९८९ वर्सा भाऊसाहेब बांदोडकर शिक्षण संस्थेच्या नवजीवन विद्यामंदिर, धारबांदोडें हांगा शिक्षक म्हूण रुजू. १९९० वर्सा गोमंतक विद्यालय, तीस्क हांगा बदली. २००३ वर्सासावन अभिनव विद्यामंदिर मोलें हांगा शिकयता.

ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन,

श्रीस्थळ, काणकोण, गोंय ४०३ ७०२